कुळागर

जुलय-आगस्ट १९८९

कुळागर

जुलय-ऑगष्ट १९८९

वर्स : अिकरा

अंक : ७-८

अंकाचें मोल : २ रुपया
वर्सुकी पटी : २५ रुपया

संपादक :
नारायण वाडोळकार

जायरात विभाग प्रमुख :
अनिल पै

छापणावळ :
एस. जे. हुंद्रे
रवि मुद्रणालय, कडोलकर गल्ली,
बेळगांव. फोन : २३०७९

छापपी आनी उजवाडावपी :
चंद्रकांत केणी
कुळागर प्रकाशन,
पो. बॉ. नं. ७८
मडगांव-गोंय-४०३६०१

मांडावळ

मनोगत / २

अुतरांचें यादस्तीक / बाकीबाब बोरकार / ३

हांवेय केला मोग / नारायण बोरकार / ७

ग्रंथकर्त्याची वळख / शांताराम अनत हेदो / १०

सांवटांतलें द्वंद्व / शशांक सीताराम / १३

केंस गळून पडप / डॉ. भिकाजी घाणेकार / १६

' रकानां ' मास्तर आनी- / अवधूत चाडणेकार / १७

डायरेंतलीं पत्रां / दिनेरकार / १८

सवसार म्हजो-तुजो / समता रमाकांत नाईक मगेशकर / २०

कण्णगी / अभयकुमार / २३

ह्या अंकांत परगटायल्लीं मतां त्या त्या बरोवप्यांलीं. हातुंतले, बरपाबळीचो उपेग करचो जाल्यार बरोवप्याची लेखी मान्यताय घेवप गरजेचें.

कुळागर

जुलय-ऑगष्ट १९८९

वर्स : अिकरा

अंक : ७-८

अंकाचें मोल : २ रुपया
वर्सुकी पटी : २५ रुपया

संपादक :
नारायण वादोळकार

जायरात विभाग प्रमुख :
अनिल पै

छापणावळ :
एस. जे. हुंद्रे
रवि मुद्रणालय, कडोलकर गल्ली,
बेळगांव. फोन : २३०७९

छापपी आनी उजवाडावपी :
चंद्रकांत केणी
कुळागर प्रकाशन,
पो. बॉ. नं. ७८
मडगांव-गोंय-४०३६०१

मांडावळ

मनोगत / २

अुतरांचें यादस्तीक / बाकीबाब बोरकार / ३

हांवेय केला मोग / नारायण बोरकार / ७

ग्रंथकर्त्याची वळख / शांताराम अनत हेदो / १०

सांवटांतलें द्वंद्व / शशांक सीताराम / १३

केंस गळून पडप / डॉ. भिकाजी घाणेकार / १६

' रकानां ' मास्तर आनी- / अवधूत चाडणेकार / १७

डायरेंतलीं पत्रां / दिनेरकार / १८

सवसार म्हजो-तुजो / समता रमाकांत नाईक मगेशकर / २०

कण्णगी / अभयकुमार / २३

ह्या अंकांत परगटायल्लीं मतां त्या त्या बरोवप्यांली. हातुंतले, बरपावळीचो उपेग करचो जाल्यार बरोवप्याची लेखी मान्यताय घेवप गरजेचें.

मनोगत

कुळागर फाटलीं धा वरसां सातत्यान येता. कोंकणी वाचप्यांची भूक आपलेपरीन जमता तशी भागोवपाचें काम कुळागर करता. विगड–विगड शैलींतली कोंकणी एकठांय हाडपाचेंय काम कुळागरान आजवेर केलां कांय कारणाक लागून कुळागर नेमान वाचप्यांच्या हातांत येना जालो. फाटले कांय अंक खूब उसरां भायर सरले. एकेतरेचो आळस आयलो म्हळ्यार जाता. पूण आतां हो आळस पयस जाला. आनी हाचेमुखावेले अंक आमी वाचप्यांक नेमान दितले म्हणपाची खात्री आमकां जाल्या.

कुळागरान वेगळे कांय प्रयोगूच करपाचे थारायल्यात. हाचेमुखावेल्या अंकानी तुमकां ते दिसतलेच. एकाद्रचा लेखकाचें पुराय साहित्य एकाच अकान छापून तें वाचप्यांक दिवचें असोय एक विचार आसा. सप्टेंबराचो अंक ताचोच एक नमुनो म्हणून आमी काडटले. ह्या अंकांत वाचप्यांक कोंकणीतले एक समर्थ कथाकार महाबळेश्वर सैल हांच्यो कथा वाचूंक मेळटल्यो. ते भायर भारतांतल्या व्हड-व्हड मनशांची चरित्रां दर एका अंकात छापून हाडपाचो आमचो विचार आसा. ह्या आनी फाटल्या अकांत आमी धर्मानंद कासंबी ह्या व्हड गोंयकाराचेर बरयल्ले लेख छापल्यात. हे लेख मात्शे पोन्ने. अशें आसलें तरी तांचे म्हत्व उणें जायनां. गोंयात जायते व्हड मनीस जावन गेले. आयचे पिळगेक तांची खबर ना. तांची वळख करून दिवप जाण्टे पिळगेचें काम कुळागर हे जाण्टे पिळगेक विनती करतां, ताणीं व्हड-व्हड गोंयकारांची वळख आयचे पिळगेक करून दिवची. ह्या व्हड गोंयकारांची चरित्रां बरोवन वा लेख बरोवन कुळागराक धाडल्यार आमी ते अंकात छापूंच ते भायर तांची पुस्तकांय उजवाडाक हाडूं. आमी कांयजाणांकडेन वैयक्तीक सपर्क दवल्लाच तरी आसतना सगळ्यांक मेळप शक्य नाशिल्यान ही विनंती केल्या.

आमची वाचप्यांक विनंती– सदचाक छपाई आनी कागदाचें मोल खुबूच वाडलां. अशे परिस्थितींत प्रकाशन म्हळ्यार बांल्साक खार. आमच्या अंकाचें मोल साप उणें. इतलें उणें मोल आमी फकत कोंकणी मनशाक– ल्हानांतल्या ल्हान मनशाक परवडचें म्हणून दवल्लां. देखून जांची वर्गणी सोंपल्या आनी अजून जाणीं ती धाडूंक ना. ताणीं वर्गणी धाडून आमच्या ह्या कामांत आपलोय हातभार लावचो.

– संपादक

अुतरांचे यादस्तीक

– बाकीबाब बोरकार

काल अतूंब्राचे ९ वेर आचार्य धर्मानंदाचे शताब्दी वस सोपून दोन दीस वतकच तांच्या मूदलच्या घरच्या भायल्या आंगणांत कोंकणी भाशा मंडळान येवन पिंपळाचो अेक रोपलो रोवपाचो समारंभ जावन आयलो. हे पयलीं तांगेल्या सगळ्या शताब्दी वर्सांत गोंयात खंय तांचे यादस्तीक तर जालें नाच, खंय कोणे विशेशशी तांची यादय केली ना. 'अिश्वर फरे और हम सब अूनका अनुकरण करें' अशे अुद्गार तांच्या निर्याणा अुपरांत महात्मा गांधीन काडले असो हो गोंयात जल्माक आयिल्लो अेक महान पुण्य पुरुस जगद्बिख्यात बौद्ध साअित्याचो प्रकांड पंडीत संस्कृतायेचो अेक अन्य साधारण भाश्यकार आनी संशोधक त्याभायर निर्मळ निरागस साधूचरित्र परिवाग्रहक, ताजी शिश्यछात्र महाराष्ट्र अमेरिका रशिया हांगा पातळिल्ली, साल १९४६ विले पाल्ल्यांचो सत्याग्रह हांचे दूरीणपण ताणीं केल्लें. पूण तांच्या बाबतींत आमच्या गोंयांत सामकीच विसर पडिल्लेवरी दिसली. अेखाद्रचाचें धार्जणे आसता. आपलें धोलकें वाजय नासतना तो आयुश्यभर लोकाची सेवा करीत आसता. तातूंतच समाधान घेवन आसता. जगांत आपले सेवेची नोंद घेवची अशें तो मानीना लोकय तांची याद करीनात. धर्मानंदाचे बाबतीत अशेंच जालें. गोवा हिंदू असोसिअेशनान तांच्या आत्म चरित्राचो सोबीत ग्रंथ काडलो म्हजेपूरते हांवे तांचो जो प्रस्त्या विद्ग्रंथ भगवान बुद्ध ताजो साअित्य अकादमीखातीर अणकार तयार करून दिलो आनी कोंकणी भाशा मंडळाच्या वावूरप्यांनी काल ताच्या नांवान पिंपळाचो रोपो लायलो. तांच्या शताब्दी वर्सांत घडलें तें हें अितलेंच.

तांची यादी तांचे संबंदीची भाशणां बी आठवतकच हांव घरा पर्थलों आनी म्हजें मन विशण्ण अशा कुपांनी आदरून आयलें. पोरण्यो यादी चित्रपटाचें रिल अुक्तें जायत वच्चें तशो मनाचे दोळे फुडें वचूंक लागल्यो. दिसलें त्यो सांगत वचप मनांतल्या मनांत. म्हजेपूरतें ल्हानशें यादस्तीक अुबें करचें ह्याच खातीर हो फुडलो अुतरांचो प्रपंच.

बारावें वर्स लागल्यार मराठीच्यो अडेज यत्ता, पूर्तूगेजे प्रेमेर सेगुंदग्रांव आनी अिंग्रजीच्यो तीन क्लासी हावे केल्ल्यो. फुडें म्हजे शिक्षणांखातीर बिराड करपा अितली घरची आस्पत नाशिल्ली. म्हाका खाणावळींत दवरूक जाण्टें राजी नाशिल्ले ताकालागून म्हजी दोन वर्सां घरांत सापडटा तें पुस्तक वाचपांत आनी बोरयेतले दोंगर आनी गाळी हेडपांत गेलीं. मनाची व्यथा ल्हव करूंक म्हाका कवितेचें साधन हाताक सापडलें. चौदावें वर्स लागल्यार अेक दीस बोल्सांत जायत अशा आकाराचें पांचव्या कोराचें पूस्तक म्हज्या हाताक सापडलें तांजे नांव 'निवेदन' तें अुघड जाल्यार आरंभाकच आसरमांडी घाल्लो अेक फोटो म्हाका दिश्टी पडलो. पळेनाफूडें हो कोण तरी महान पूण्य पुरुस अशी मनोमन म्हजी खात्री जाली. तो कोण काय म्हळ्यार आचार्य धर्मानंद कोसंबी. हें पुस्तक आशिल्लें तांचे विद्येच्या साधनेचे सविस्तर वर्णनांचें. म्हजे भशेनच जाचे शिक्षणाची वाताहात जाली. तें वीसाव्या वर्सा मेरेन जाका सगळे घळ म्हणून काडिल्लो तो, जाचें अिंग्रजींत १ ले यत्ता मेरेन शिक्षण जांवक पावलेंना भुरगेपणांतच लग्न जालें तो हो भूरगो पयली चली जावन म्हयनो जावचे पयली घर संवसार सोडून वता कितें? आनी अनंत हाल अपेश्टा, मान भंग, पाय पीट, भिक्षादेही अशी सगळ्या तरांचे दर्द काडून फुडच्या सात वर्सां भितर गुरूवर्य डॉ. भांडारकर हाणी जाहिर तुस्त करची अितलें संस्कृत आनी पाली हातूंतलें प्रकांड पांडित्य संपादन करता कितें? भुरग्या पणाचे आपले रोजनीशींत ताणे बरयिल्लें तागेलो प्रगल्भ विचार गोंय सोडटा आसतना. ताणी काडिल्ले तळमळीचे अुदगार ह्या सादना प्रवाहात सोशील्यो यातना वाचतना म्हजो गळो परतो परतो दाटून येतालो. गिता वाच्चे पयली अुदरेद् आत्मान आत्मना : ह्या सुत्राची रूजवण म्हज्या मनांत पयले प्रथम जाली ती ह्या पुस्तकाच्या वाचनान. ताजो म्हजेर अितलो प्रभाव पडलो. कि तांच्याच पावलार पावल दवरून हांवे म्हजे शिक्षण फुडें दवल्ले म्हणून तांचे भशेनच घर त्यागपाचे विचार कोणाकच संशय लागूंक दिनासतना दनपारच्या कडार हांव घरांतल्यान भायर सल्लो पसुन पूण म्हजे मनस्थितीचेर पाळत दवरून आशिल्ले म्हजे आवयन शंभर पाणलांचेर म्हाका गाठलो आनी आपल्या दुकांनी विळखो घालून म्हाका परतो घरा हाडलो. आज मनांत येता हे पुस्तक कोंकणीत अनुवादीत जांवन भूरग्यावयांत गोंयांत जर प्रत्येकाच्या हातांत पडत तर ह्या गोंयात केदो कायापालट जातलो.

फुडें हांव म्हज्या मार्गाक लागलों आनी धर्मानंदाक विसल्लोपसून. पुण तांच्या आत्म चरित्रान म्हज्या मनांत रूजवणां घाल्ले बी रोंपो जावन वाडत आशिल्लो. फुडें १९३१ ते ३६ व्यवसायाक आनी शिक्षणाक लागून हांव पणजेंत अुल्लों. विसाव्या वर्सा म्हजे कवितेचे पयले पुस्तक प्रसिद्ध जाल्लें ताका लागून आमच्या समा-

जांतल्या तेन्नाच्या धोरगाचो लोभय म्हाका मेळ्ळो पुण थंय तांच्या तोंडसून धर्मानंदासंबंधान म्हाका बरें चडशें आयकूंक मेळ्ळेंच ना. तांचे साधनाबद्दल, व्यासंगाबद्दल, आमी पांडीत्याबद्दल तांका आदर आशिल्लो अशे न्हय. पूण ह्या मनशाक शिश्टाचार ना. असोच बहुतेकांचो समज जाल्लो. हाजे विशेश कारण म्हळचार महात्मा गांधीक जे सत्य निश्टेचे आनी सेवावृत्तीचें वळण सगळ्या देशाक लावंक केल्लें ताजी जागमाग ह्या लोकांक नाशिल्ली. आनी ताकाच लागून धर्मानंदाचें वागणूकेचो फाव तसो अर्थ तांकां लावंक आयलो ना. देखीक दोनूच गजाली सांगतां. १९२४ सालांत बेळगावांत राष्ट्रीय-कांग्रेस अधिवेशन भल्लें. अध्यक्ष आशिल्ले महात्मा गांधी जांका लागनसू पळोंवक मेळचे म्हणून तेन्नाचे बरेचशे आमचे फुडारी खादीचे फांत करून घेवन आनी घालून बेळगांवां अधिवेशनाक गेले. धर्मानंद गांधीचे निकटवर्ग तातूंत गोंयकार. म्हणून तांचे मदेस्तीन हे गांधीक मेळूंक गेले. गोंयच्यान आयिल्ले हे असले लोक खादी वापरता तें पळोवन गांधीजींक मोठो संतोश जालो. स्वाभाविकच धर्मानंदाक ताणी विचाल्ले, हें केन्नाच्यान खादी वापरतात ? धर्मानंदान म्हळें ' ते मुजरत तूमचे ओडीन ह्या अधिवेशनांक आयिल्ल्यान अशे पयलीच फावट खादी घालून आयल्यात. धर्मानंदाची ही जाप तांकां सगळ्यांकच झोबली. तांच्या पैकी अेका जाण्टेल्यान म्हाका ही खबर सांगली. म्हळें.' बाकी ताणे अशें आमकां गांधीकडेन विकप मरे ?' हांवे प्रतिप्रस्न केलो. ' मागीर ताणे कितें फट अुलोवचें आशिल्लें ?' ' पुण शिश्टाचार म्हूण कितें आसा मरे ?' ताणे परतेंय म्हाका विचाल्लें. हांव बोगीच रावलों.

दूसरी गजाल. हीय म्हाका तांचे पैकी अेकट्यान सांगली. हाजो म्हजो खूब जीवाळो, मनीस सविध्य्, रसज्ञ्, समृद्ध, ताणें आयकलीच खबर. त्याक्षण लागून धर्मानंद पणजेंत आयिल्लो. मळ्यांतले अेका वाचनालयाचे चालक तांका मेळूंक गेले. आनी ताणी आपल्या वाचनालयांत अेक भाशण दिवचें अशी चालकानी तांकां विनंती केली ताणी हां म्हणटकच चालकांनी म्हळें ' तुमकां ह्हरपाची आमी व्यवस्था करतात ' धर्मानंदानी म्हळे ' तुमी म्हाका दिस आनी वेळ सांगात. हांव येतां तितलीच पासय जाली ' त्या प्रमाणे नेमील्ले दिसा आनी वेळेर धर्मानंद वाचनालयांत आयले. यो जाल्यार साल रिकामें दारांत अेक भूरगो तितलो उबो आसा. सालांत जंय थंय बाकांचेर धुल्लाचो थर. दारांत आशिल्ल्या भूरग्याकडेन ताणी सान्नीखुटारो मागून घेतलो. सगळें साल झाडलें. आंगसो मागून घेवन सगळे बांक पुसून लख्ख केले. अितलें जायसर चालक, तांचे फाटोफाट श्रोते येवंक लागले धर्मानंदान केल्ली ही वाचनालयाची सेवा पळोवन सगळ्यांक त्यांची तोखणाय दिसूंक फाव आशिल्ली आनी तांचे विशीचो आदर वाडूंक फाव आशिल्ले, पुण आपणाले अूणे ताणी जगार घालें असो विप्रयास करून घेवग तें दूरमूरीत जाले. आनी ताणी तांचे सबंदात वायट ग्रह करून घेतलो. सांगपाचें तात्पर्य कि धर्मानंदाचे काळचे व्हड मनीस तांकां वळखूक पावलेना. आनी ताचेकडल्यान म्हजे पिळगेच्या कामार ज्यो फटो आयल्यो तांकां लागून आमकांच धर्मानंदाचे व्हडपण कळूंक पावलें ना. ताजो परिणाम असो जालो कि संवसारातलें व्हडले व्हडले लोक तांचेकडल्यान शिकले पुण ! अेक I. C. S. Lad सोडल्यार आमचे पिळगेंत त्या कोंणेच तांचे कडल्यान विद्या घेतलीना. आपली गरीब कायेच्या संवसारांतल्यान धर्मानंदानी स हजार रुपयांची पूंजी तयार करून घेंप्याक दिली ठेव म्हणून दवरूंक. सांगलें कि अितलेच पयशे लोकांनी करचे आनी पणजेंत स्त्री शिक्षणाची शाळा सुरू करची. गोंयात रिपब्ली कांय वर्सा गेली. चिड्डून आशिल्ले हिंदूलोक आपले अुदर गतीच्या हांवेसान संस्था अुब्यो करूक लागिल्ले. निश्टेन चलयताले पूण धर्मानंदाविशीच्या नश्टे पूर्व ग्रहांक लागून ताणी दवरिल्ल्या रक्कमेचो सद्पयोग करपाची बुद्ध कोंणाकच जाली ना. आपणे दवरिल्ली ठेव कितली वर्सा जाली पडून आसा हें पळोवन धर्मानंद वाजेले आनी ताणी ती म्हाराष्ट्रातले अेक स्त्रीशिक्षण संस्थेक दिवन अुडयली.

लोहियाची चळवळ १९४६ क सुरु जाले अूप्रांत हांव ते धूमचक्रींत पडलो. फुडें म्हयन्याभरयांत हांव मुंबय पावलों. आचार्य कालेलकर आतां I. C. S. लाड हांचे मदीं संबंध लागशिल्ले जाल्लेच. धर्मानंदा संबंदान तांच्या तोंडसून हांवे बरीचशी तुस्त आयकली. मुंबयत पावतकच तांचो म्हजो अधीक घनिश्ट संबंध आयलो. आनी धर्मानंदाच्यो आनीक कितल्योशो खबरी श्रायकूक आयल्यो. तांगेली सत्रनिश्टा तांगेले निष्फळपण तांगेली निर्लोभ वृत्ती तांगेले निगर्वी पण हांच्यो. तांतल्यो हांगा दोनतिनूच सांगता.

तितल्यांत आयचे पिळगेंत धर्मानंद हे कितले अुतूंग व्हडवीकेचे पुण्यपुरुस आशिल्ले हाजो थोडो तरीं अदमास येतलो.

कलकत्त्याच्या कॉलेजांत धर्मानंद प्रोफेसर आसतना तांकां अडेचशे रुपया पगार मेळटालो. पूण अध्यात्माच्या कामाक लागून संशोधनाक जाय जाल्लो वेळ मेळूंक पाविल्ल्यान ते भितल्ल्या भितर खंतो जाताले. अेकदीस तांच्या मनांत आकले की श्रीमंत सयाजीराव गायकवाड हे खासा विद्यावंत आनी विद्येचे पुरस्कर्ते तांकां बरोवन पळोवचें. त्याप्रमाणे ताणें तांका पत्र घालें. तांची जाप आयली महाराष्ट्रात खंयीय तुमकां जाय थंय तूमीं रावचें बडोदा सरकार म्हयनो म्हाल तुमकां पन्नास रुपया पावते करतलो. अट अितलीच वर्सां अेक पुस्तक बरोवचें आनी बडोदा सरकाराक दिवचें. ते छापपाची व्यवस्था ताजे कडल्यान जातली धर्मानंदान केवळ संशोधनाच्या अूपासनेक लागून हे मान्य केलें. हे गजालीक लागून सयाजी रावांचो आनी धर्मानंदाचो स्नेह आनी सलोखो वाडलो. अेकदीस अुलयतां अुलयतां धर्मानंदान सयाजी रावांक विचाल्लें तूमी येदे विद्यावंत, राज्य आदर्श करचें हो तूमचो हांवेस अशें आसून तुमगेल्या राज्यांत भाटयो चलतात, गादयो चलतात आनी लोक सोरो पिवूक आरोग्य आनी संवसार वाटेक लायतात हें कशें ?

सयाजी रावांन जाप दिली. ' हें हें सगळें बंद केलें जाल्यार संस्थानची येणावळ बुडटली आनी शिक्षणाखातीर आयज जी रक्कम खर्च जातां तितली खर्चूंक मेळचीना. अर्थात ती जाप धर्मानंदांक मानवलीना. पुण ते वोगेच रावले. कांय दिसांनी सयाजीरावांनी अित्सा दर्शयली कि आदर्श सम्राट अशोक हाजेर धर्मानंदाची

बडोदघाक तीन व्याख्यानां जावची. धर्मानंदानी तें मान्य केलें. व्याख्यानाक अध्यक्ष सयाजीरावच आशिल्लो. आपल्या निमण्या व्याख्यानाक अशोकाचो राजकारभार कसो चलतालो हाजे विवरण करतना ताणी म्हळें सोरो तयार करप, विकप आनी पिवप हें प्रजेच्या अधःपाताचें म्हणून ह्यो विनय गजाली अशोकान कायदयान बंद केल्यो. अशें केल्यार सरकारो येणावळींत तूट येतली अशें म्हळेंना आनी आयली म्हणून तिजी पर्वा केली ना. धर्मानंद जशे पूण्य पुरूश्य तशेच सयाजीराव आदर्श आशिल्ले, धर्मनिश्ट आशिल्ले. सर्वधर्म परिशदेचे तिन फावटी अध्यक्ष आशिल्ले धर्मानंदाची शिटकावणी ते अूमजले. तांची अूतरां ताणी विरमाचेर व्हेलीना, अूफाट्ट, प्रांजळमनान अध्यक्षीय समारोपान म्हळें ह्यो तीनय गजाली आमच्या राज्यांतल्यान कायमच्यो बंद जावपाचें फर्मान फाल्यांच सुट्टलें.

हें जालें सत्यनिश्टेमुखार राजसत्तेचें तमान करपी धर्मानंदाचें वर्तन.

धनाढ्य अुद्योगपती म्हणून घनश्यामदास बिडला हांचो केदो लौकिक. तांचे निशाणू केल्ले चेकबूकच खंय गांधीकडेन आसतालो. देशकार्याखातीर गांधीजीन केदेय रकमेचो चेक काडचो. गांधीजीचेर तांची येदी निश्टा. अेक फावट ते गांधीकडेन गेल्ले आसतना धर्मानंद गांधी सरीं बशिल्ले आशिल्ले. गांधीनी तांकां धर्मानंदांची वळख करून दिली आनी दोन अूतरांनी तांचीं व्हडवीक सांगली. पयलीं ती तांच्या कानारय गेल्ली म्हणून विडलाजीन म्हळें, संशोधनाचें काम करतले मनशाक स्वास्थय आसूंक जाय. हांगा लागींच म्हजो अेक बंगलो आसा. थंय ते रावले, आनी थंडसाणेन आपल्यालें काम चलयलें जाल्यार म्हाका मोठी खोस जातली.' ह्या वक्तार धर्मानंद थंय रावंक कबूल जाले. फूडें कांय तेपान धर्मानंद परेल भागांत गिरणी कामगारांची सेवा करूंक लागले. आनी बुद्ध हो पयलो साम्यवादी (कम्युनिश्ट) पुण ताका साम्यवाद सत्यान आनी अहिंसेन आयिल्लो जाय तातूतच खरें यश आनी अुदरगत आसा अशे ते कामगार लोकांक समजावन सांगूक लागते. ही खबर जेन्ना बिडलाजीच्या कानार पावली तेन्ना ती ताका नाकसूडीन गेली. कामगार अशे जागे जाले जाल्यार फूडें किते परिस्थिती येतली हें वळखूपाचें चातुर्य बिडलाजी सारख्या प्रतिभावंत अूद्योगपतीक आसलें जाल्यार अजाप आसा ? कांय दिसांनी गांधीजी सरी आयिल्लेकडेन धर्मानंद तांकां दिश्टी पडलो. अूलोवण्याच्या ओघांत बिडलाजीन धर्मानंदाक म्हळें ' हालीं तूमी संशोधनाबदला हेर अूचापतीच चड करतात अशें आयकतां.' धर्मानंदाक शिट्ट जालें. पूण ते कांयच अूलयलेना. देफेत दाखयनासतना थोडे वेळान अूठून गेले आनी ताणी त्या बंगल्या वेली आपली साटली पोटली फाटकळेर माल्ली आनी बंगल्याची चावी बिडलांजी कडेन पावती केली. चावी हातांत पडनाफूडे बिडलाजी गडबडले. धर्मानंद बंगलो सोडून गेले जाल्यार प्रतिश्ठांमदीं आपली पत वतली हें ताणी तत्काळ वळखलें आनी धर्मानंदांनी परतें बंगल्यांत रावंक येवचे म्हूण गांधीजींकडें खूप रदबदली केली. गांधीजीनी आपलेपरीन धर्मानंदाक समजावपाचो यत्न केलो. त्या अूतराक धर्मानंदान गांधीक म्हळें ' हांव ब्राह्मण म्हाका लोभांत घुस्पावं नाकात ' गांधीजी अूमगले आनीक फूडें कांयच अूलयलेनात.

सत्यनिश्ठेमुखार धर्मानंदाक जशी सत्तेची तमा नाशिल्ली तशीच संपत्तीचीय नाशिल्ली हाजे हें जिते-जागते अुदाहरण.

अमेरीकेचो ल्यानमन आनी रशियाचो सॉर्बेस्टी दोगूय पट्टीचे विद्वान संशोधक. पूण तितलेंच अहमन आनी महत्वाकांक्षी. हाणी दोगांनीय आपापलें युनिव्हरसीटींत धर्मानंदांक आपोवन व्हेले आनी पिठकल ग्रंथाचें ताणी संशोधन करपाचें काम तांचेर सोपयलें पुण तांचे, संशोधन पुरतें जातकच तें आपलें नावार प्रसिद्ध जावचे अशी वान्सा आशिल्ली. म्हणून तशे दडपण ते तांचेर हाडपाक लागले. हें तांचे वर्तन धर्मानंदाक सोसलें ना. तांगेलें म्हणणे धुडकावन ते देशाक परतले. हाजोच अर्थ असले मतलबी विद्वत्तेची पर्वा ताणी केली ना.

धर्मानंदाच्यो असल्यो खबरी आयकता-आयकतां म्हजी तांच्या सबंधाची भक्ती दिशी-मासी वाडत गेली. केन्ना काय तांकां मेळूंक मेळटा अशें म्हाका जाल्लें. पणजे अेकदां वाटेन वतनां तांकां हांवे पळेलेले पुण तांची वळख करून घेवपाक, हांव धजलो ना. आनी ती संद हांवे व्हगडायली म्हणून म्हज्या जिवाक जे चिट् मिटे पडिल्ले ते आतां चड चड वाडूंक लागिल्ले, फाट पर्थून जेन्ना म्हजे फाटलें आयुष्य पळेतां तेन्ना म्हाका दिसून येता कि जेन्ना जेन्ना अशे अुदात्त गजालीचो म्हज्या मनांत ध्यास्त घेतला तेन्ना तेन्ना

दुकळे, भोबे आनी कंपनी

पणजी

✱ प्लायवूड ✱ सनग्लोस

✱ सेनिटरी वेअर आनी ✱ ग्लेझ्ड तिजुले

When you plan bathrooms to last a lifetime, beautifully.

मडगांव-शो-रूम

सॅनी-प्लाय सेंटर मडगांव

अकस्मात योगायोग येवन म्हजो हो ध्यास्त सफळ जातलो. हे फावटीय तशेंच जालें.

१९४७ वर्सा आब्रिलाचो म्हयनो आसलो. नक्की तारीक म्हाका आतां स्मरना. गोंयच्या स्वातंत्र्य संग्रामांत म्हजो अेक सहकारी मित्र दोतोर विनायक मयेंकार गांवदेवीक म्हजो बापोल-भाव वसंतबाब हांगेर हांव रावतालों थंय म्हाका मेळूंक आयलो. ताणें म्हाका म्हळें, ' हांव मुजरत आज तुजेकडेन धर्मानंदाचो निरोप पावोवंक आयलां. ताणें तुका कळोवंक सांगलां.'

हांव सामको झेलार जाल्लेवरी जालो.

'पायांत जिनो चडपाचे त्राण ना ताका लागून तुमकां मेळचेली अित्सा आसूनय हांव तूमचेसरी पांवक शक ना. तुमी म्हाका मेळूंक शकल्यार म्हाका भोव खोस जातली.'

ते तेन्ना मरीन ड्राइव्हाक आपले व्हडले चलयेगेर राविल्ले आनी थोडचाच दिसांनी सेवाग्रामाक वचपाचे आशिल्ले. मयेकार-कडल्यान म्हाका हिवूय खबर कळ्ळी कि आपले देहाचो हे फूडें जगाक अुपयोग ना. आनीक वाचन जाल्यार लोकांची सेवा मात घेवची पडटली म्हणून अन्न अुदक वर्ज्य करून देहविसर्जन करचे अशे थारावन ते अुतर प्रदेशांक खंयचे तरी रानांत गेले. पुण हे गजालीचो गवगवो जावचेलो जालोच. आनी ती गांधीजीच्या कानार पडली. ताणी ताबडतोब धर्मानंदाक निरोप धाडलो. ' पयलीं म्हाका येवन मेळात. मागीर अुलोवया. त्याप्रमाणे ते पर्थले आनी वाटेंत चालयेगेर राविल्ले. ही खबर कळना फुडें केन्ना काय म्हाका तांची भेट जाता अशे म्हाका जाल्लें. दूसरे दिसा सांजवेळच्या साडेपाचाच्या अदमासाक हांव आनी वसंतबाब ते रावताले त्या फ्लेटांत पावले. बेल वाजयली तेन्ना ताणींच दार काडलें आनी ते आमकां सालांत घेवन गेले. आमी अेकमेकांच्या सामकार बसले. व्हडल्या जनेलांच्या विद्रासांतल्यान मोव वताचो पसय ताचे मूद्रेर आनी आंगार पडली. शरीर तर थकिल्लेंच, नूरा प्रसन्न आनी शांत आशिल्ली. सादनेचें दिव्य तेज तांतल्यान जळाळटालें. भव्य कपाळ, धारदार नाक आनी धवें फुल्ल मोटवेंच खाड आनी नुरा पळोवन हांव अुपनिषद काळीन ऋषी मुखार बसलां अशी म्हजी भावना जाली. हांवे तांकां म्हळें ' काल तुमचो निरोप मेळ्ळो. पूण म्हाका नीजाच्या गोंयकाराचोसो दिसलोना तो. शिश्टाचाराचे भाशेंत सांगचे जाल्यार तुमी खरें म्हळचार म्हाका वोद करपाची आनी हावे ती तत्काळ पाळपाची. कारण तुमी म्हाका म्हज्या बापाय सूवातेर.

धर्मानंद सूखाविल्ले दिसले. ताणी शूद्ध साश्टीचे कोंकणींत म्हाका म्हळें. ' तें सोड पूण म्हाका अेक सांग तू कवी तांतूंत कुटूंब वत्सल अशें आसून संवसार वाऱ्यार सोडून तू ह्या रणांगणांत देंवलो हे कितें ? '

लाडांकडल्यान म्हज्या संबंदातली सगळी खबर धर्मानंदाक कळ्ळया हें हांवे वळखलें आनी तांका म्हळें, हांव स्पश्ट अुलयल्यार तुमकां वायट दिसना मूं ? '

' शॅऽ शॅ तुमी निकतेक अूलयात. '

' शिरोडचाच्या सत्याग्रहाचे विले पार्ल्याचे सत्याग्रहांत धूरीण पण तूमी समर्थ प्रणाम केलें. सद्याच्या आमच्या गोयच्या सत्याग्रहा अशेंच धूरीण पण करप हो खरें म्हळचार तुमचोच अधिकार ते तूम न केल्यान म्हजे सारकेल्या अनधिकारी मनशाक म्हाका तातू पडचे पडलें. म्हणजे तुमीच म्हाका तातूंत लोटले अशें जालें ना ?'

' हय म्हज्याय मनांत आसलें पूण गांधीजींची अनुमती म्हाक मेळ्ळीना. गांधीजी हे तर म्हजे दैवत. म्हजो बापूय चाटे पावला रामनाथाचो प्रसाद घेतलो. हांव गांधीजींचो घेतां अितलोच फरक.

ते अूप्रांत आमची बरोच वेळ अूलोवणी जाली. अखेर हां तांकां परतेय विचाल्लें. ' तूमी मरूंक मुखार सल्ल्यात हें खरे ? '

देह विसर्जनाच्या विचारांची साध्यंत हकिगत ताणी म्हाक सांगली आनी थोडेच दिसांनी आपूण सेवाग्रामांत चल्ले अशे ते अूल यले. हाजेर तांकां हांवे म्हळें. ' तशें जाल्यार जे गोंयचे भूयेंत तूमचे हाडां किल्ललीं थंयच ती पडप अिश्ट न्हय ? '

म्हजो हो प्रस्न आयकून म्हज्यांत बशिल्लो म्हजो बापोल भा बैचेन जालो दिसलो. ताका हें म्हजें अूद्धटपण दिसले जावंये पूण धर्मानंदाक तशें दिसलें ना. थंड सांगेन ताणी म्हळें. ' विचार करी सारको आसा तूमचो हो प्रस्न. येवजून मागीर हांव सांगतां' आमक दिसलें गरजे भायर आमी ताचो वेळ घेतलो म्हणी आमी वचूंक अूठले. वसंत बाबान म्हळें ' तुमची हरकत नासल्यार तुमचो फोटो घेतलों म्हणटा.'

ते मान्य जाले. बरे अवस्थेंतलो तांचो हो फोटो अखेरचो फोटो हालींच राष्ट्रमतांत आयला तो तोच. ते लिफ्ट पर्यंत आमकां पावंक आयले अितलेंच न्हय तर हाता पायांचेर सारको ताबो नासूनय ताणीं लिफ्टाचें दार अूगडले. ' आनी जमल्यार आयचे भाशेनच फाल्यां सांजवेळा येयात ' अशें ताणीं आमकां सांगलें. तशे आमी गेलेय बी. ह्या प्रसंगा अूप्रांत रवींद्रबाब केळेकार म्हाका मेळ्ले तांका हांवे म्हळें ' असो पूण्यपुरुस गोंयात परतो केन्ना जायत देव जाणां तेन्ना तूका शक्य आसल्यार सेवाग्रामांत वचून धर्मानंदांच्या सहवासांत राव आनी तांतल्यान मेळोवं येत तितलें पूण्यतीर्थ आनी प्रेरणा मेळय. '

धर्मानंद सेवाग्रामांत गेले हें आमकां कळ्ळें त्या अूप्रांत थोडचाच दिसां भितर तांचे म्हाका अेक पत्र आयलें. तातूंत ताणीं बरयिल्लें ' तूजो विचार म्हाका पटलो. मोंयांत वचूंक हांवें खंयचे गाडयेन भायर सरचें आनी खंयचे स्टेशनार तूं म्हाका घेवंक येता तें रोखडेंच कळोंवचें. '

पत्र हातांत पडना फुडें हांव मात्सो चपापलो. कारण तांकां गोंयात व्हरप हीं मोठी जापसालदारकी आशिल्ली. हांवें पत्र वसंत बाबाक दाखयलें ते म्हज्याय परस चड गडबडले. लाडांचो सल्लो घेवचो म्हणून आमी ताबडतोब टॅक्सी करून तागेर गेले. हावें दिल्लें पत्र पळेना फुडें लाडांनी म्हळें,

' अहो हे काय केले ? तुमी हे अक्षरशः हळाहळ बोलावून

(पान ९ पळयात)

हांवेय केला मोग !

– नारायण बोरकार

'खरेंच म्हजेंच चुकलें. सामकें चूकलें हावेंच चुकयलें. साप घसरलें. सामकेंच घसरलें. तेन्ना जर मात्सो चार चौघां बशेन शाणपणान वागता, मात्सो हेवटेन तेवटेन विचार करता जाल्यार हो वेळ येवचो नासलो. निदान कोणाक म्हणूंक जाय तरी आशिल्लें, कोणाक विचारूंक तरी जाय आशिल्लें कोणाकडे कंसल्ट तरी करूंक जाय आशिल्लें. कांयच केलें ना. आनी आतां–'

'आतां कितें ?'

'आतां कितें ? नशीबूच हें अशें. आज वर देड वर उसरां आयलों–'

'हय, हावूंय तेंच तुमकां विचारूंक करतालें असो उशीर सो कित्याक जालो, गाडी मेळ्ळी ना ? काय–'

'पुरो पुरो तुजें विचारप, पुरो तुजो भरंभर. आज वर देड वर चड काम करचें पडलें. भायर सरपाक त्या काळमुख्यान म्हज्यान फायली हाडून उडयल्यो आनी अर्जंट कर म्हळें. बरें पुरो जावन आयलों, पावतां पावतां तोंडाक सामकी च्याची तल्लफ आयली आनी हांगा कदेलार बसून बूटांच्या लेसी सोडयता जाल्यार तूं हातांत खुटी च्याचें कोप घेवन ! कितें नशीब, कसले भोग हे ? खरेंच चुकलें, सगळेंच चुकलें गो, आज तें जर आसतां–'

'कोण, कोण तें ?'

'वंदन, वंऽदन, वंऽऽदन.'

'वंदन ? हें आनी कोण वंदन म्हणून ?'

'वंदन कोण तें नकळो तूं ?'

'नकळो हांव. खरेंच नकळों. तुमी पयली लग्न बी जाल्ले काय कितें ? तुमची बायल ?'

'शट अप. कितेंय मूर्खपणाचें विचारूं नाका. किते विचारचें म्हणटात ताका लेगोत अक्कल लागता.'

'कोण तर ?'

'कोण ? माय लव्ह, माय डार्लींग.'

'डार्लींग ? डार्लींग म्हळ्यार ?'

'डार्लींग म्हळ्यार म्हजी प्रेयसी.'

'तुमी मोग केल्लो तर ?'

'एस्– एस्. हांवें मोग केल्लो. खूब मोग केल्लो.'

'पूणुन अशें अकस्मात आजूच याद जावपाक कारण कितें काय म्हणटां हांव ?'

'तूं म्हणटा ? म्हाका ताजी सदांच याद जाता. उतरा पावलाक म्हाका वंदनाची याद जाता.'

'मागीर आजूच शे म्हाका सांगतात.'

'आज म्हाका सांगूकच जाय आज म्हज्यान कसोच ओध धरूं नज जाला. सदां हाव म्हाका सांबाळटां. सांबाळून सांबाळून कितलो तेंच म्हणून तोंड धांपून रावप ? केन्ना ना केन्ना ताजो स्फोट हो जातलोच. तसो तो आज जाला. मामको राव नज जावन. ताजे करकरीत बांगडे हाडले. तुवें कितें केलें ? ताजी मचमचीत उडुमेथी करपाची सोडून केलें पचपचीत कांद्याचें हुमण ! तेन्ना जी म्हाका तिडक मारली तीच म्हाका वंदनाची याद जाली. बरीं जांभळींच ताळगांवचीं वायंगी हाडलीं ताजे बरें भर्त करपाचें सोडून फोडी घालून केलो रोस पचपचीत. तकली जी भिरभिरली तीच वंदनाचीं याद आयली. बरीं बाजारांतली कुरकुरीत तोरां हाडली तांचें रोखडेंच लोणचें करप ना. दोन दिसां उपरान्त मोव पडटकच तांचे लोणचे लोळोवप. कुळकुळचा तोरांची फोड तोंडांत घाली काय जी तिडक मारली तेंच वंदन दोळ्यां मुखार उबें !'

'वंदन तूमकां रांदून वाडटालें ?'

'शट अप ! असले प्रस्न मदीं विचारूं नाका. ताजे हातची च्या लेगीत हावें घेवंक ना. पूण तें दिसतालें बरें.'

'अं, दिसतालें बरें, म्हणून तें रांदतलेंय बरें अशें म्हणटात तुमी ? तशें जाल्यार म्हजे रांदप कशे बरें लागना तर तुमकां ?'

'तूं बरें दिसता ? तुका तूं बरें दिसता जायत. तुजे रांदप तुकाच आवडपाचें.'

'हांव गोरें, गोमटें, स्मार्ट, बरे दिसपी म्हळ्यार सुंदर म्हणून तर तुमी म्हजेकडे लग्न जाल्ले न्हय ?'

'कोण सांगता ? कोण सांगता तो ? फट, साप फट. ते खातीर हांव तुजेकडे लग्न जावंक ना. हांव जालां तो वंदन मेळ्ळें ना म्हणून.'

'कितें वंदन मेळ्ळें ना म्हणून ?'

'कितें ! तूं वंदनाक वळखता काय कितें ?'

'ना. ना. हांव तुमच्या त्या वंदनाक वळखना. कोण तें ?'

'कित्याक तुका ? तूं चवकशी करूंक वता काय कितें ?'

'आतां इतल्या वर्सां उपरांत कसली चवकशी करतलें ? पयली तरीं केन्नाय सांगल्यार करूं येताली.'

'गरज ना. कांय गरज ना तुवें चवकशी करपाची. हावूंच सांगतां तुका. हांव तसो कांय म्हजें प्रायवेट लिपोवन दवरपी न्हय. समजलें ?'

'मागीर 'वृंदे वृंदे' म्हणून वृंदेच्या नांवान विष्णून शोक केलो तसो तुमी वंदनाच्या नांवान जो 'वंदना वंदना म्हणून शोक

करनात तें वंदना कशें मेळ्ळें ना तर तुमकां ?'

'देर यू आर. पूण आयक सांगतां म्हजो शोक विष्णू भशेन न्हय. हांवें वंदनाचें काय वायट करुंक ना. आनी वंदनानूय म्हाका शाप दिवंकना. अशें दिसता, अशें दिसता तुजेकडे घटस्फोट घेवंचो'

'कितें घेवचो म्हळें ?'

'घटस्फोट, घटस्फोट !'

'आतां घटस्फोट घेतात ?'

'अशें कितें, घेवक मेळना ? केन्नाय घेव येता.'

'बरें, म्हजेकडेन घटस्फोट घेवन तुमी वंदनाकडेन लग्न जातले ? वंदन लग्न जावपाचें रावलां व्हय तुमचे खातीर ? कोण हें वंदन वंदन म्हणून ? खंय मेळ्ळें तुमकां तें ?'

'आं, आतां तूं जाग्यार आयलें आनी तुवें प्रस्नूय सारको विचारलो. व्हू इज वंदमा ! ती एक व्हड स्टोरी आसा.'

'आसूं हांव बसतां न्हय हांगा. जेवण कितें वरा भितर जातलें, सांगात तुमी तुमची स्टोरी.'

'आयक, सारकी आयक. बरी करून आयक आयज मेरेन हांवें ही स्टोरी कोणाक सांगली ना. तुका खंयची सांगतलो ? म्हजे सामकेंच चुकलें फसलेंच म्हणपाचें हांव कॉलेजांत भितर सरलों तोच सुर्वेक चुकीचो मुखवटो घालून.'

'पूण रुपडीं घालून वचपाक कॉलेजाचीं ॲडमिशनां शिगम्या म्हयन्यांत नासतात.'

'तसले रूपडें न्हय. कितेंय विचारूं नाका मदींच हो सभ्यतेचो मुखवटो. एक सभ्य भुरगो. एक बरो भुरगो एक बरी वागणूक आशिल्लो भुरगो. पयलीं हांव सभ्य म्हूण वागलों आनी मागीर कॉलेजांतल्या भुरग्यांनीच म्हाका सभ्य सभ्य म्हूण वागयलो. तांचे खातीर मागीर म्हाका सभ्य सभ्य म्हूण वागचें पडलें. परिणाम–परिणाम वायट जालो. साप वायट जालो.

'कितें जालो परिणाम ?'

'कितें जालो ? हावें हातचें वगडायलें आनी,'

'आनी कितें ?'

'न्हय तेंच हातांत पडलें. राव सांगता आयक. हांव ज्यु. बी. ए.क शिकतालों. कॉलेजाच्या हॉस्टेलांत रावतालों. वर्स सुरू जालें काय नवे नवे भुरगे हॉस्टेलांत रावपाक येतालें. ते वर्स तसोच एक भुरगो आमच्या हॉस्टेलांत रावपाक आयलो. आनी एक चली चलयांच्या हॉस्टेलांत रावपाक आयलें. तशें चलयांचें हॉस्टेल आमच्या हॉस्टेलाक लागीं नाशिल्लें. पयसूच आशिल्लें म्हळ्यार जाता. कितें सांगतलों ? दोगांय भुरगीं आमच्याच गांवचीं. तशीं दोगांय म्हज्या परम ल्हानूच. एक दीम सहज म्हज्या कानार त्या चल्याक आमचे हॉस्टेलांतले भुरगे त्या चलयेच्या नांवान उलो करतात तें आयकूंक आयलें. हावें केन्ना केन्ना तें दोघांय उबी रावन उलयताली तीं पळेल्लीं हावें हॉस्टेलांतल्या भुरग्यांची एक बसका घेतली आनी बसकेंत सगळ्या भुरग्याक हांवें म्हजे सिनियरिटीचो फायदो घेवन तापोवन काडले. त्या आमच्या गांवच्या चल्याची आनी चलयेची फकणां केल्ली म्हाका खपचिना आनी हांव ओगी रावन आयकून घवचो ना अशेंय तांकां सांगलें. सगळे भुरगे मोठे गुन्यावकारी कशे ओग्गी रावले. कोणूच उलयलो ना. कोणेच जाप काडलिना. हांवें तांकां सांगले तीं भुरगी पयलीपसून गांवच्या शाळा इश्कोलांत बरोबर शिकल्यांत तीं एकमेकांकडें कॉलेजांत उलयलीं म्हूण तुमी तांची फकणां करपाचें कारण ना. बसका सोंपलीं.

रोखडोच कांय दिसांनी तो चलो एका तिसरेच चलयेचो मोग करपाक लागलो आनी तें चली तशाच एका तिसऱ्याच चल्याचो मोग करपाक लागले. भुरगे फकणां करपाक लागले. पूण हांव ते भानगडींत परत पडलों ना. ही दोगांय म्हळें धड न्हय. आपलेंच हाशे जावपाचें आनी कितें ! पूण ते खातीर काय कितें कोण जाणां पूण हॉस्टेलांतले भुरगे म्हजो हांव सभ्य म्हणून चडूच आदर करपाक लागले. आनी कितें सांगतलो ही म्हजी सभ्यतेची नामना फक्कत हॉस्टेला पुरतीच उरलीना तर ती चल्यांच्या हॉस्टेलांत लेगीत पावली. आनी त्योय चलयो हांव खंय वाटेर मेळ्ळो काय सभ्यतायेन म्हजेकडे पळोवन हांसरे तोंड करपाक लागल्यो.

म्हज्या एका इश्टाच्या सांगणेक लागून हांव इंटरवालाक लायब्ररीच्या दाराभायर गेलरींत कांय भुरग्यां बरोबर उबो रावपाक लागलो. म्हज्या इश्टाचे कोण तरी मोगी लायब्ररीत येताले जांवक जाय. आनी ताका पळोवपाक थंय रावंक ताका कोण तरी वांगड जाय आशिल्ली हावूंय थंय उलयत रावपाक. लागलों. एक अतिशय सोबीत दिसपी चली हातांत एक लायब्ररीचें पुस्तक घेवन आमच्या मुखावेल्यान लायब्ररींत गेलें. हांव ताका पळेतूच उल्लों. हें म्हजे ताका पळोवप म्हज्या इश्टाच्या लक्षांत आयलें जावंक जाय ताणे रोखडेंच म्हाका म्हळें, 'बरें दिसता ना रे ?'

'हय बरे सोबीत दिसता. कितें काय नांव ताजें ?'

'मिस वंदन' ताणें म्हळें

हिंदी वाङ्मय मंडळाची वेंचणूक जाली. हांव सेक्रेटरी म्हूण वेंचून आयलों रोखडेंच गॅदरिंग जावपाचें आशिल्ले म्हजो हो इश्ट कॉलेजांत आयल्यार तीन वर्सां जाल्लीं. पूण ताका गॅदरिंगांत पार्ट घेवपाक एकूयदां चान्स मेळूंक नाशिल्लो. वर्सान वर्स एकूच ग्रूप गॅदरिंगांत पार्ट करतालो. म्हाका इश्टान स्वता जावन म्हळें ना पूण म्हाका जायत्या जाणां कडल्यान कळ्ळें तो बरो पार्ट करता म्हूण. हांवेंच ताका आग्रो केलो आनी ताणे काम करपाचे मान्य केले. आमच्या एकांकिकेंत पार्ट करपाक एक चली जाय आशिल्लें. किते अजाप ! वंदनूच आपूण जावन पार्ट करतां म्हूण सांगपाक म्हजेकडे आयलें. थंयच ताजी आनी म्हजी वळख जाली. मागीर सदांच सांजचो पांचाक एक वरभर कॉलेजांतल्या एका हॉलांत येसाव जाताली. म्हजेकडें तें मोठ्या आदारान उलयतालें. एक दीम तें म्हाका म्हणूंक लागलें तूं असो इंटरवालाक लायब्ररीच्या दारा भाय कित्याक उबो रावता ? हांवें सांगले म्हज्या इश्टाक वांगड दिवपा म्हूण. तें म्हाका म्हणूंक लागलें तूं थंय उबो रावं नाका, तुवें थंय उबो रावप बरें दिसना. तें आनीक चड उलयलेंना, पूण म्हज म्हाकाच लज जाली. दुसरे दिसापसून हांवें थंय उबो रावपाचें सोडूं दिलें.

गॅदरिंगांत हिंदी एकांकिका चालू जाली आनी अकस्मात वंदन नाच करपाक फायलीकडें आयलें. आवयस्! कितें सुंदर दिसतालें वंदन! म्हज्या सट् करून तोडांत आयलें, 'तृषित चातक मेघमाले यावें यावें, सुकांत चंद्रानना पातली–'

'तुमी म्हळें?'

'म्हज्या तोंडांत आयलें, पूण उतरां भायर आयलीं ना. कितें केलो पार्ट ताणें वा! एकांकिका सोंपल्या बरोबर हांव स्टेजींत गेलो आनी कॉंग्रेच्युलेशन्स म्हणून ताका हात दिलो. थेंक्यू ताणें म्हळें, तेन्नाच्यान हांव ताजो मोग करपाक लागलों.

एक दीस कॉलेजांत डिबेट जाल्ली. विशय आशिल्लो 'बायलांक समान हक्क आसचो' खरें म्हळचार वंदनान तांतूत वांटो घेतला हें म्हाका खबरूच नाशिल्लें. तांतून ताणें समान हक्क आसचो म्हूण प्रोपोजिशनान वांटो घेतिल्लो. किते सुंदर उलयले तें? पूण विरोधान म्हाका उलोवचेंच पडलें. हांवें कडक विरोध केलो. बायलांक कशाय परिस्थितींत सारको हक्क मेळचो न्हय म्हूण हांव गळघाच्यो शिरो फुलोवन उलयलों. म्हाकाय चेव आयिल्लो. आमचो जय जालो. वंदनाची बाजू पडवी. म्हाका मागीर खूब वायट दिसले. तेंय म्हाका येवन मेळ्ळे ना. हावेंय ताजे कांय कौतुक केलें ना. उपरान्त परिक्षा जाल्यो. हांव म्हज्या घरा गेलों तें ताज्या घरा गेले.

'फुडें कितें?'

'फुडें कितें? हांव पास जालों आनी सर्विसेक लागलो. फुडें तुजे तोंड पळोवपाचें नशिबान आशिल्ले.'

'म्हणटकच आतां कितें करतात?'

'घटस्फोट घेतलो म्हणटां.'

'घटस्फोट! पूण वंदन खंय आसा तें जाणांत तर तुमी?'

'सोदनलो.'

'पुण तें तुमचे खातीर लग्न जावपाचें रावलां तर?'

'त्यो खबरी तुका नाका.'

'बरें आसा. हांव म्हजो ट्रंक हाडटां.'

'ट्रंक सो कित्याक?'

'पळेयात तुमी.'

'कितें! हो चादर सो कित्याक भरता ट्रंकांत?'

'तो म्हज्या आवयन दिल्लो म्हाका.'

'कितें! साडयो बी कित्याक भरता तूं ट्रंकांत?'

'त्यो तुमी हाडिल्ल्यो साडयो न्हय,'

'खंय चल्लें तर तूं?'

'घेयात तुमी घटस्फोट. हांवूंय चल्ले म्हज्या मोग्याकडें.'

'तुज्या मोग्याकडेन? तुवेंय मोग केल्लो?

'मार तुमीच कोण मोठे मोग करपी? हयवय हांवेंय बी मोग केल्लो.'

'म्हाका केन्नाच सांगलें ना तुवें.'

'तसो वेळ केन्ना आयलो ना आज आयला.'

'कोणाचो केलो?'

'अभिताब बच्चन, जीतेंद्र, मिथुन चक्रवर्ती.'

'इतल्यांचोय मोग केलो तुवें?'

'इतल्यांचोच कित्याक? धर्मेंद्र, राजेश खन्ना.'

'आतां कोणाकडे वता?'

'ते तुमकां कित्याक?'

–❀–

उतरांचे यादस्तीक

(पान ६ वेल्यान)

आणलें. गोव्यांतल्या पुर्तुगीज अंमलदारांनी धर्मानंदांच्याबाबतीत कांही आगळीक केली तर महात्माजींना आणि उभ्या देशाला त्यांत पडावे लागेल, अवेळी पडावे लागेल याचा काही विचार?' आतां मात्र मी खरोखर घाबरलों. लाड पुढे म्हणाले, 'सुदैव तुमचे माझे म्हणून काकासाहेब योगायोगान मुंबईत आहेत. कालच त्यांचा मला फोन आला.'

लाडान रोखडीच गाडी काडली आनी तशेच आमी डॉक्टर नामावटी गेट ते अुतल्लेले थंय गेले. लाडांन सगळी खबर काका सायबांक सांगली. हांव भितल्या भितर कसो वरमलां हें तांणी वळखलें आनी म्हळें, 'कवी, तुमचं तसं काही चुकलं नाही पण गोव्याच्या आनी भारताच्या हिताच्या दृष्टीन महात्माजींच्या आदेशानुसार ह्या घटकेला धर्मानंदानी वागावे हेच इष्ट आहे. मी त्यांना आतांच पत्र घालतो.'

'पण मला आलेल्या पत्राला मी अुतर न करून कसे चालेल?' मी विचारले.

काकासाहेब उत्तरलें 'घ्या कागद आनी लिहा मी सांगतो तसे. तें मी माझ्या पत्रांतून पाठवतो.'

सगळें यथासांग जालें आनी आयिल्लें अपसरण टळळें. अेक गजाल अुमजली गांधी हे तर धर्मानंदाचे दैवत आशिल्लेच. गोंय हेंय तांकां केदे श्रेश्ट दैवत दिसतालें हाजो ह्या पत्रांत म्हाका पुरतो साक्षात्कार जालो.

ही खबर हावें अेका अिश्टाक सांगली तेन्ना ताणें म्हाका म्हळें, 'म्हणटकच धर्मानंदबीय आमचेभशेनच संसारी आशिल्ले तर!'

हावें ताका जाप दिली. 'कांय लोक फकत संन्याशीच आसतात कांय संवसारीच आसतात. पुण यथासांग संवसार करून निरिच्छ संवसार करपी ह्या संवसारांत भोव थोडे. अेखाद्रोच रवींद्रनाथ, अेखाद्रोच गटे, आनी अेखाद्रोच धर्मानंद, असल्यांकच Univarsal man, पूर्ण पुरूस म्हणटात. धर्मानंदाचे रूपान आमच्यात वा आमचे मदीं अशो अेक पूर्ण पुरूस जालो हें आमचें भाग्य आनी अजून तांका आमी वळखूंक शकलेंना हे तितलेंच व्हड दुर्भाग्य.' म्हजो अिश्ट अवाक जालो.

अशें हे ल्हानशेंच अुतरांचे ल्हानशेंच यादस्तीक.

–❀–

ग्रंथकर्त्याची वळख

– शांताराम अनंत हे

भगवान बुद्धावेलो श्री. धर्मानंद कोसंबींचो ग्रंथ मेळोवन नवभारत ग्रंथमालेन ग्रंथकाराचे कीर्तिमत्तेचे बाबतींत अुंचांतलो अुंच आकडो गांठला. पालिभास आनी बौद्धधर्म हांतले निष्णात म्हणून तांचें नांव संवसारांतल्या विद्वन्मंडळांत परिचित आसा.

धर्मानंद कोसम्बी हांचें पूर्वायुष्य हें हालींच्या काळाक क्वचित सांपडपी धर्मजिज्ञासेचें अुत्तमांतले अुत्तम अुदाहरण. केवळ तेविसाव्या वर्सा वयावेले बायलेक सोडून आनी संवसाराक खोंट मारून कल्याण कारक अशा धर्माचें ज्ञान करून घेवपाचे मळमळीन घराभायर सरिल्या धर्मानंदाची खबर वाचली म्हणटकच संसारदुख्ख ना करपी धर्म मार्गाचे सांदी खातीर घरादाराचो त्याग करपी गौतमाचे चित्र दोळ्यां सामकार आयल्याबगर रावना. संवसारीक संकष्टां कोणाचेर येनात ? हजारांनी आनी लाखांनी लोकांचेर ती येतात. त्या प्रसंगार मनीस जे तरेन वागता ताजेवेल्यान ताजे मोल थारता. गोंयच्या अेका ल्हानशा गांवात १८७६ सालाक जल्मा आयिल्ल्या धर्मानदांचेर तरणेपणांत कांय संवसारिक आपत्ति आयल्यो आनी तांचे 'चित्त प्रपंचांत रमनाशें जाले' 'बुद्धाचेर म्हजी अदिकादिक स्त्रद्धा जडत चल्ली. प्रपंचाचो जसो जसो वीट येत गेलो तशी तशी म्हजी स्त्रद्धा दृढ जायत गेली. बुद्ध म्हजे सर्वस्व अशें म्हाका दिसूंक लागलें कितलींय संकष्टां येवंत, कितल्योय अिपत्ती भोगच्यो पडून, बुद्धो-पसाचें' ज्ञान म्हाका जालें म्हणटकच म्हज्या जल्माचें सार्थक जालें, अशे म्हाका दिसूंक लागलें.' अशें धर्मानंदांनीच त्या काळांतले आपले मन:स्थितीचें वर्णन केल्लें आसा.

प्रबळ धर्मजिज्ञासेक लागून अिसवी सन १८९९ सालचें अखेरेक निष्कांचन अवस्थेंत घराचो त्याग केल्या अुपरांत ह्या तरूणान जें पर्यटण केलें आनी ज्यो कल्पनेनायल्यो हालइपष्टा सोंसून बौद्ध धर्माचें ज्ञान आनी ताज्या वांगाचे आत्मसमाधान संपादलें तांचो वृत्तांत अत्यंत अद्भूत आनी चमत्कार करपी आसा. धर्मज्ञान प्राप्त करून घेवपा खातीर, आरंबाक संस्कृत शिकपाचें धर्मानंदांनी थारायलें. त्या खातीर पयलीं पुण्याक, थंयच्यान वाल्हेराक आनी थंयच्यान काशीक ते गेले. संस्कृत विद्येच्या ह्या कुळारांनी तांच्या शिक्षणाचो सोय सोंपेपणी आनी बरे भशेन जाल जेवणाची सोय मात तांकां अन्न छत्रांतच लावन घेवची पडली थंय प्रवेशय कष्टातच मेळ्ळो. सुमार देड वर्स व्याकरण (कौमुदी आनी साहित्य हांचे अध्ययन केल्या अुपरान्त धर्म जिज्ञासेन धर्मानंदांक नेपाळाक वचूंक प्रवृत्त केले. बुद्ध भगवानाच्या धर्माचे जि तट्टटित अवशेष, भगवंताची जल्मभूंय असो मान मेळयल्य नेपाळ राज्यांत थोडे पूण पळोवंक मेळटले अशे आशेन ते थं गेले. पूण अति आनी जिज्ञासू अशा ह्या तरुणाक थंयची विपरीत परिस्थिती पाळोवन अपार विषण्णताय आयली. थंयच्यान ते बुद्धगयेक गेले. बौद्ध धर्म ग्रंथांचें सम्यक ज्ञान सैलांवाक गेल्यान जातलें अशें थंयच्या अेका भिक्षून सांगिल्ल्यान धर्मानंद थंयच्यान तडक सैलांवाक वचूंक भायर सल्ले. मेजमापाभायर दगदग कष्ट आनी संकष्टां सोंसून ते अेकादांचे सैलांवाक पावले. थंय अखेर तांकां जाय आशिल्लें तें, म्हळ्यार धर्माचें ज्ञान मेळ्ळें. कोलंबो शारालागशिकच ' विद्योपय विद्यालय ' नावाच्या विहारांत भिक्षू धर्मानि रावन ताणी महास्थावंर सुमंगलाचार्य हांच्या हाताखाल पालिग्रंथांचो अभ्यास केलो. पूण सैलावांत खाणा जेवणाचे हाल जांवक लागिल्ल्यान तांचें आरोग्य बरें अुरना जालें, म्हणून ते वर्सा-भरयान परतले आनी मद्रासाक गेले. थंय स म्हयने रावन विशेष अध्ययन करपाच्या अिरादयान ब्रम्हदेशाक गेले. थंय विहारांत रावन ताणीं ध्यान मार्गाचो अभ्यास केलो. पूण थंयच तांगेलें आरोग्य बरे अुरना जाल्ल्यान ते परते हिंदुस्थानाक आयले. भिक्षूच्या भेसांतच भगवान गौतमाच्या आयुष्यांतल्या चिर-स्मरणीय घटनांनी पवित्र जाल्ल्या सारनाथ, कुसिनारा, कुम्बिनीवन, कपिलवस्तू बी बौद्ध क्षेत्रांच्यो ताणी यात्रा केल्यो. अुपरान्त परते ब्रम्हदेशाक वचून मंडाले शारालागशिच्या वेगवेगळ्या विहारांत रावन वर्सभर ताणी बौद्ध धर्म ग्रंथांचो आनी ध्यानमार्गाचो अभ्यास केलो आनी थंयच्यान १९०६ सालच्या आरंबाक हे भिक्षू धर्मानंद परते कलकत्याक आयले.

त्या अुपरान्तचो कोसम्बीचो आयुष्यक्रम रासवळ स्वरुपांचो

जाल्यान तातूंत पयलीच्या अितली रम्योद्भूताय आनी लोकविलक्षणूपण प्रत्ययाक येना तरी लेगीत तांचें ह्या फुडलें सगलें आयुष्य स्वदेशसेवेच्या हेतून प्रेरित जाल्यान तें आदल्या आयुष्याअितलेंच अुद्बोधक आनी अुदात्त भासता. स्वतः अितल्या कष्टांनी मेळयल्ल्या बौद्ध धर्माच्या (आनी पालि वाङ्मयाच्या) ज्ञानाचो आपणाल्या देशबांधवांमदी प्रचार करप ह्या ध्येयान हे फुडल्यो तांच्यो करण्यो प्रेरित जाल्ल्यो दिसतात. वंगभंगाचे चळवळींतल्यान अुपरासिल्ल्या कलकत्त्याच्या नॅशनल कॉलेजांत आनी कलकत्ता युनिव्हर्सिटींत पालि भाशेच्या अध्यापकाचो जागो ताणी पत्कल्लो. परंत कोसंबींची विशेष अित्सा आपणाल्या महाराष्ट्र बांधवांत बौद्ध ज्ञानाचो प्रसार करचो अशी आशिल्ली. ताणी श्रीमंत सयाजीराव गायकवाड हांची भेट घेतली. ह्या उदार मनाच्या राजान थोड्याच दिसांभितर तांकां फुडलो संदेश धाडलो, 'तुमी महाराष्ट्राच्या खंयच्याय शारांत रावशात जाल्यार तुमकां बडोदें सरकारांतल्यान म्हयनोमाल पन्नास रुपया मेळटले आनी ही मजत तीन वर्सांमेरेन चालू अुरतली. मात वर्सांतल्यान अेकाद्रें पुस्तक बडोदें सरकाराखातीर तुमी बरोवन तयार करूंक जाय. बरीच भवति न भवति करून अखेर कोसंबींनी गायकवाड सरकाराचो हो आस्त्रय पत्कल्लो. ह्या संबदान खासा कोसंबी म्हणटात. 'मासिक २५० रूपयांची (कलकत्ता युनिव्हर्सिटीची) नोकरी सोडून श्रीमंत गायकवाड महाराजांनी दिल्ल्या पन्नास रूपये वेतनाचो स्वीकार केल्याबद्दल म्हाका केन्नाच पच्छताप जालोना. हें वेतन स्वीकारूंक नाशिल्लें जाल्यार डॉ. वुडस् हांची गांठभेट घडची नाशिल्ली आनी अमेरिकेक वचपाची संद मेळची नाशिल्ली. पुण्याक येवन राविल्ल्यान डॉ. भांडारकरांचो लागशिल्लो संबंद जडलो आनी तांचे खटपटीन मुंबय युनिव्हर्सिटीत पालिभाशेचो प्रवेश जावंक पावलो.'

डॉ. जेम्स एच्. वुडस हे अमेरिकेतल्या नावाजत्या हार्वर्ड युनिव्हरसिटीचे प्रोफेसर आशिल्ले. तांकां पालि शिकोवपाच्या निमित्यान कोसंबींचो तांचेकडेन परिचय जालो. परिचयांतल्यान स्नेह जावन 'विशुद्धी मार्ग' नांवाच्या बौद्ध तत्वज्ञान ग्रंथाच्या संशोधनाच्या कामांत मजत करूंक म्हणून डॉ. वुडसांनी कोसंबीक अमेरिकेक आपोवन घेतले. सयाजीराव महाराजांची परवानगी घेवन कोसंबीनी १९१० च्या आब्रिलांत अमेरिकेक प्रयाण केलें. हार्वर्ड मदले संस्कृत बी अुदेन्तेच्या भासांचे प्रमुख आचार्य प्रा. ल्यानमन हांच्या सहकार्यान कोसंबींचे काम सुरू जालें. कोसंबींनी कसून काम करून 'विशुद्धीमार्गा'चें संशोधन १९११ चे अखेरेक सोपयलें. परत ल्यानमनाकडेन तांगेलें पटना जालें. कोसंबींचे प्रयत्न गौण लेखून सगळें संशोधन आपल्याच नावार प्रसिद्ध जावचें असो ल्यानमन हांचो मानस दिसलो आनी आपणालो बेत सादना अशें दिसलें तशे ते तिडले आनी तापले. तेन्ना कोसंबींनी अमेरिकेच्यान परतुपाचें थारायलें आनी ते १९१२ च्या जानेरांत न्यूयॉर्कच्यान स्वदेशाक येवंक भायर सरले.

हिंदुस्थानांत येतकच प्रा कोसंबींनी डेक्कन अेज्युकेशन सोसायटीन आपयल्यान पांच वर्सांचे बोलीन फर्ग्यूसन कॉलेजांत पालि भाशेच्या प्राध्यापकाची नोकरी घेतली. तांगेले अध्यापकी कारनिर्दीत बौद्ध धर्माचे आनी पालिभाशेचे जायते विशय तांच्या हस्तकीं तयार जाले. कै. चिंतामण वैजनाथ राजवाडे, डॉ. पु. वि. बापट (फर्ग्यूसन कॉलेजांतले पालीचे प्राध्यापक), प्रा. ना. के. भागवत, (सेंट झेव्हियर कॉलेज, मुंबय हांगचे पालिचे प्राध्यापक) हीं सगलीं कोसंबींच्याच शिष्य मालकेतलीं लखलखीत रत्नां.

म वर्सां फर्ग्यूसन कॉलेजांत नोकरी केल्या अुपरान्त डॉ. वुडसांनी अमेरिकेक येवपाचो खूब आग्रो केल्यान ते १९१८ सालाक परते अमेरिकेक गेले. ह्या वेळार म्हायुद्ध सुरू आशिल्ल्यान अमेरिकेचो हो प्रवास कोसंबींनी पूर्वेवसल्यान पॅसिफिक म्हालसमुद्रांतल्यान केलो तांचेवांगडा तांगेलीं भुरगी आनी श्रीमती पार्वतीबाय आठवले ह्यो आशिल्ल्यो. हे फावटी अमेरिकेंत कोसंबींचो मुक्काम सुमार चार वर्सां जालो. १९२२ च्या आगोस्तांत ते परतले. थंय ताणी संशोधनाचें काम बरेंच केलें पुण ल्यानमनच्या दुराग्रहाक लागून हेय फावटी तांकां त्रास जालोच.

कोसंबींच्या विचारांक नवी दिशा १९११ सालचे अमेरिकेचे पयले सफरेपसूनच लागत वताली. अमेरिकेंत ताणी समाजशास्त्रावेल्या ग्रंथांचें– चड करून समाजसत्तावादाचें खूब वाचन केलें. भांडवलशाय ना करून समाजाची मांडावळ साम्यवादाचे बून्यादीचेर केल्यानच सर्वसाधारण लोकाक सुख लागतलें आनी समाजांतली सर्त, धोंस बी गजालींचें मूळ कातरतलें, अशी तांची खातरी जायत वताली. पुण अस्तमतेच्या देशांनी साम्यवाद मूळ धरूंक पाव नाशिल्लो आनी सगळ्या राष्ट्रांचे हात हिंसा आनी अत्याचार हाणी बुरशे जाल्ले हें तांकां सोंसनाशिल्लें. 'संसारांतल्या कष्टीकुळवाडी वर्गान अशेतरेचो प्रेमाचो मार्ग पत्कल्ल्यावगर समाजाच्या हस्तकीं जावपी मनशाची हत्या थांबचो ना. पुण देशाभिमानान उन्मत्त जाल्ल्यांक तो कसो सांपडटलो? अशे मनःस्थितींत, भांडवलशायेचें आगर जाल्ले अमेरिकेंत बेचैन चित्तान दीस सारता आसताना १९२०–२१ सालच्या गांधीजीन सुरू केल्ल्या सत्याग्रहाच्यो बातम्यो थंय अेका फाटोफाट येवन पावंक लागल्यो. त्यो आयकून कोसंबींचें अंतस्कर्ण धन्यतायेन भरून गेलें. 'राष्ट्रद्वेषाचे पिडेंतल्यान पार पडूंक हाजेवगर अन्य मार्ग आसूंच नज' असो तांचो ठाम ग्रह जालो.

अशे रितीन कोसंबी अमेरिकेतल्यान आयले ते मनान साम्यवादी सत्याग्रहाचे पुरस्कर्ते जावन आयले. हिंदुस्थानांत येतकच १९२२ ते १९२५ मेरेन गांधीजीनी काडीलल्या गुजरात विद्यापीठाच्या पुरातत्वमंदिर शाखेंत पालि भाशेचे आचार्य ह्या नात्यान ताणी काम केलें. हे अवधींत मराठींत आनी गुजरातींत ताणी जायतीं पुस्तकां बरयलीं. प्रा. ल्यानमन सेवानिवृत्त जाल्ल्यान 'विशुद्धिमार्गा'चें संस्करण पुरतें करपाची संद आतां मेळटली हे अपेक्षेन १९२६ च्या आरंभाक धर्मानंद परते अमेरिकेक गेले आनी सेतेंब्र १९२७ मेरेन सगलें संस्करण छापून तयार जातकच ते स्वदेशाक परतले.

हिंदुस्थानाक येतकच घरकान्नीक घेवन ताणीं सगळ्या

क्षेत्रांच्यो यात्रो केल्यो आनी गुजरात विद्यापीठांत ते पयलींभशेन रावंक लागले. १९२९ सालाक लेनिनग्राड (रशिया) च्या बौद्ध संस्कृतायेच्या अभ्यासाखातीर स्थापिल्ले संस्थेत काम करपाखातीर ते रशियाक गेले. तांगेल्या पयलीच साम्यवादी जाल्ल्या मनाचेर रशियांतल्या अणभवांचो वरोच अणकूल परिणाम जालो. रशियांतली हवा, रीतरवीस आनी खाण जेवण मानवना जाल्ल्यान अेका बर्सा भितरच म्हळचार १९३० चे सुर्वेक ते हिंदुस्थानाक परतले. हांगा-येवन पळेतात जाल्यार सगळो देश सत्याग्रहाच्या संग्रामाखातीर सज्ज जाला. मार्सा म्हयन्यांत सुप्रसिद्ध दांडी कूच जालें. धर्मानंदांनी ह्या स्वातंत्र्य युद्धांत अुडी घेतली. खेडचापाडचांतल्यान प्रचार केलो, शिरोडे (रत्नागिरी) च्या मिठाच्या सत्याग्रहांत वांटो घेतलो आनी निमाणें विलेपार्लेचे सत्याग्रह– छावणीचें प्रमुखपण स्विकारलें. थंय तांकां अटक जातकच हायकोर्टान रोखडेंच तांकां सोडून दिले. १९३१ च्या ओतुब्रांत डॉ. बुडसच्या आग्र्याक लागून चवथे फावटी ते अमेरिकेक गेले आनी थंयच्यान १९३२ सालाक परते आयले. ह्या अुपरान्त १९३४ सालच्या आगोस्तांत ते बनारसाक वचून रावले. विद्यापीठाच्या चालकांनी तांचेखातीर अेक ल्हानशें घर बांदून दिलें त्या घरांत रावन ताणीं ' हिंदी संस्कृति आणि अहिंसा ' हें पुस्तक बरयलें.

कष्टी कुळवाडी वर्गाभितर बुद्धाच्या अहिंसा तत्व ज्ञानाच्या प्रसारात स्पृश्या–स्पृश्य भेद ना करून समता स्थापूंक येत काय कितें हें अदमासपाच्या अिराद्यान परळचे वस्तींत अेक आस्रम स्थापन करपाचें काम कोसंबीनी त्या अुपरान्त हातांत घेतलें. तांच्या अिराद्या प्रमाण १९३७ च्या जानेरांत ' बहुजनविहार ' ची स्थापना जाली. थंय आपणाल्या अुद्देसानसार ते काम करूंक लागले.

थंय रावन आपणालें अुद्देश सिद्धीक वचचेनात अशें कांय वर्सांच्या अणभवान तांच्या मनान घेतलें तेन्ना ते बनारस लागशिल्ल्या सारनाथाक वचून रावले. आयुष्याचे अखेरेक जैन तीर्थंकर पार्श्वनाथ हाणें पुरस्कारिल्ल्या ' चातुर्याम धर्मा ' न तांचे मन विशेष ओडिलें. ताजेर ताणी अेक पुस्तकय बरयलां. जैन धर्माच्या अुपदेसानसार तांच्या मनान घेतलें कि, काया निर्बळ जावन लोकांचे सेवेक ती अुपकरना जातकच तिका अन्नदीत जगवप हें पातक. प्रायोपवेशन करून ती त्यागप होच अशे अनस्थें-तलो धर्म अशें मानून ताणी अन्न वर्ज्य करूंक आरंबय केलो. महात्मा गांधीक हें कळ्ळें तेन्ना ताणी कोसंबीक ह्या तांगेल्या बेतापसून परावृत्त केले. पुण पार्थेव कुडीचें आवरण तागेल्या आत्म्याक तेन्नाच्यान मानवना जालें. अखेर गांधीजीच्या म्हन्यांत आसचें म्हणून ते सेवाग्रामाक वचून रावले आनी थंय ५ जून १९४७ दिसा तांचो देहान्त जालो.

अशें ह्या महाभागाचें लोक विलक्षण चरित्र. बुद्ध भगवानान अुपदेसिल्लो कल्याणाचो धर्ममार्ग तांकां पटलो. ताणी तो स्वता आचरून सगळयांक अुपदेसलो पुण तांगेलें मन अितल्यार थांबलें ना. अखेर मेरेन नवे नवे संस्कार घेत ते वाडत अुल्ले. मात हे संस्कार अेकामेकांकडेन जुळटे जावन अेकाच मार्गावेलीं पेणीं आसचीं तशे आशिल्ले. अमेरिकेक वतकच समाजशास्त्राचो अभ्यास घडून तांच्या मनांत मार्क्सान सांगिल्लो समाजवाद आपणायलो. पुण गांधीजीचें समग्र जीवन व्यापपी अहिंसेचें आनी सत्याग्रहाचें दर्शन जेन्ना तांकां जालें तेन्ना खरेलो समाजवाद, सत्य अहिंसेच्या मार्गानच मनशांमदीं अवतरूंक पावतलो अशी तांची दृढ धारणा जाली. तातूंत अखेरेक जैनांच्या ' चातुर्याम मार्गा'च्या व्यासंगाची भेट पडून व्यक्ति जीवनाची कृपार्थताय हेंच परम ध्येय, तातूंतच समाजवादाचें पर्यवसान जाबंक जाय, अशी तांगेली सर्व समन्वयी जीवन दृष्टी जाली. आपणाक जें जें प्रत्ययाक आयलें ताजो ताजो ताणी निर्भयपणान प्रचार केलो.

फेब्रेर १९१० त मयाजीराव महाराजांचे सांगणेन बडोद्याक बौद्ध धर्माचेर कोसंबींनी व्याख्यानां दिलीं. तांचें पुस्तक रोखडेंच ' बुद्ध, धर्म आणि संघ ' ह्या नांवान भायर सल्लें. फुडें १९१४ सालाक तांगेलें ' बद्धलीला सार संग्रह ' हें पुस्तक प्रसिद्ध जालें. ह्या ग्रंथाचे तीन भाग आसात. पयल्या भागांत गौतम बुद्धाच्या पुर्विल्ल्या जल्मांच्यो कथा आयल्यात. दुसऱ्या भागांत खुद्द गौतम बुद्धाच्यो कथा आयल्यात आनी तिसऱ्या भागांत बुद्धाचो अुपदेस आनी ताजें परिनिर्वाण हांच्यो कथा आयल्यात. ' समाधी मार्ग ' (१९२५) आनी ' बौद्ध संघाचा परिचय ' (१९२६) हीं पुस्तकां गुजरात विद्यापीठांत आसताना ताणी बरयलीं. त्या अुपरान्त ' हिंदी संस्कृति आणि अहिंसा ' (१९३५) हें पुस्तक काशीक आसतना बरयलें. हातूंत ताणी पुर्विल्ल्या भारता संबंदानचे आपणाले परिणत अवस्थेंतले विचार आनी समाजीक तत्वज्ञान प्रगट केलां. ' विशद्धि-मग्गा ' च्या संशोधनासंबंदान वयर अनेक अुल्लेख येवन गेल्यात. ह्या ग्रंथाचें संस्करण अंधेरी (मुंबय) च्या ' भारतीय विद्याभवन ' हे संस्थेन नगरी लिपयेंत हालीच प्रसिद्ध केलां. गुजराती भाशेंतय तांचीं जायतीं पुस्तकां भायर सल्ल्यांत.

गांधीजीचे प्रेरणेन धर्मानंदांच्या स्मारकाची योजना जाली. त्याप्रमाण बौद्ध धर्म आनी साहित्य हांचें निष्ठेन अध्ययन करपा-खातीर कांय विद्यार्थी लंकेक धाडचे अशें थाल्लें. शिवाय धर्मा-नंदांच्या वाङ्मयाचें सगळचा भारतीय भासांतल्यान प्रकाशन जावचें असोय संकल्प जालो.

धर्मानदाजीन आपणाल्या पूर्वायुष्याचो वृत्तांत बरयला. तो ' निवेदन ' ह्या नांवान १९२४ सालाक पुस्तक रूपान प्रसिद्ध जाला. अूत्तर आयुष्याचो वृत्तांत ताणी १९३७–३८ सालाक ' खुलासा ' ह्या नांवान बरयल्लो तो वृत्त पत्रांतल्यान प्रसिद्ध जाल्लो.

निर्लोभ, अभय आनी ध्येय निष्ठा ह्या तीन अमोल गुणांनी कोसंबीचे शील संपन्न जाल्लें. बौद्ध धर्म, तत्वज्ञान आनी साहित्य हांचे ते केवळ पंडित नाशिल्ले; पंडितांचे पंडित आशिल्ले. आपल्य पांडित्याचो वेंच ताणी बहुजन हिताय, बहुजन सुखाय केलो. तांगेलें खाशेलेपण. ह्या खाशेलेपणाक लागून पंडितांमदी तशें लोक सेवकां मदीं तांगेलें अुंचेलें स्थान अढळ आसा.

–▣

सांवटांतले द्वंद्व

– शशांक सीताराम

मृण्मयीच्या काळजांत अुरिल्ल्या दरअेक ल्हाराची संवेदना हांवे अणभवल्या. त्या ल्हारांचो जोर, अुंचाय हांवे देखल्या. खंयचीय गजाल तिणे म्हाका लिपोवन दवल्लीच ना. हांव आपलेपण दाखयतलों, धीर दितलों, अशें कितेंतरी तिका दिसता आसुंये. कित्याक कोण जाणा पुणून अशें हें घडत आयलां. लग्न जावन आयिल्ल्या दिसासावन.

मोहनदास असो अचकीत लग्न जावन येतसो कोणाकूच दिसूंक नाशिल्लें. पुणून अेक दीस मोहनदासावांगडा ही चली आयली. मोहनदास गोरो पिट्ट. दिसपाक राजकुंवरसो. हें काळसर. गुटलायिल्ल्यावरी साडी न्हेशिल्लें. मोहनदास हाका कितें म्हूण घेवन आयला काय असो प्रस्न पडिल्लो.

पुणून ल्हवूल्हवू हो प्रस्न सारको न्हय हें कळत गेलें. पेहरावांत सोबितपणा येत गेलो. पिंगट घारे दोळे, धोपरामेरेन लोळपी केंस निर्मळ सौंदर्य अुठून दिसूंक लागलें. मृण्मयीचे आनी म्हजे कसलेतरी ऋणानुबंध आसूयेत. ताजें पयलीचें नांव काशी. मोहनदासासांगातान तें मृण्मयी जालें. मोहनदास हो प्राणी घरांत बसून रावपी न्हय. लग्न जालें म्हूण तो थोडोच बसून रावत. हें घरांत अेकटें. मनशाक अुलोवंक कोणीतरी जायच न्हय. तें म्हजेमुळात येवन बसूं लागलें. थंड–प्रसन्न वातावरणांत. शितळ सावळेंत. ल्हवू ल्हवू तें म्हजेकडेन अुलोवंक लागलें. सामकें लागिच्या मनशावरी.

' हे आमचे व्हड चित्रीक खंय न्हय रे ?

म्हाका दाखयलीं रे हाणी आपलीं चित्रां. म्हाका खंय कळटात तीं, हांवे बरीं दिसतात म्हळें. खरेंच व्हड चित्रीक रे ? ... म्हाका त्या चित्रांतलें कांयच कळ्ळें ना .. म्हजें भाग्यच हें ... म्हाका खरेंच दिसना. तो म्हण्टा हांव खूब सुंदर दिसता म्हूण असामान्य. म्हजो सांवळो रंग, म्हजे घुमटाकार पिंगट दोळे हे खंय म्हज्या सौंदर्याची व्हडली आंगां. तूं हांसू नाका म्हाका ... म्हजो कोणे अशी तुस्त केलीच नाशिल्ली. म्हाका लेगीत अशें केन्ना दिसलेंच ना. अशें कितें सौंदर्य आसा रे म्हज्यांत की ताणे म्हाका चवथी पांचवी शिकिल्ल्या चलयेक, शेतांत रानांत हूम गळयत काम करपी म्हाका मागन हाडचें ?

हे आमचे चित्रां काडपाक म्हूण आमचे गांवांत गेल्ले खंय, थंय रेस्ट हावसांत. आमची रानांत वचपाची वाट रेस्ट हावसा मुकावेल्यानूच वता– हाणीं म्हजें चित्रय काडलां. चित्रांत हांव– चित्र आवडलें म्हाका– माथ्यार वजें जड जालां. घराकडेन पावपाची ताकतीक, हुमेची पांवळी देंवता, हनवटेर हुमेचें थीक. केंस हुबतात. हुमेन थोडे गालार मानेर चिकटल्यात. ...सद्दीं म्हाका पळयताले खंय ते. मागीर खबर काडली दिसता... मुद्दाम विशय काडून म्हजेकडेन अुलयताले ... सगळें जाग्यार पडटा मेरेन बरेच दीस गेले. दिवपाघेवपाचो कांय प्रस्न नासलो. खर्चाचोय प्रस्न नासलो. हां हूं करतां करतां बाब तयार जालो ... देवामुकार अेकमेकांक हार घातले जालें आमचें लग्न... तुका अजाप दिसना– कोण खंयचें हांव. अेक चित्रीक असो अचकीत हाताक धरून म्हाका घेवन येता. फाटल्या जल्माक हांवें कितेंतरी पूण्य केल्लें आसूंक जाय.'

हांव कोण ? हांचे घराफाटलो अेक आंबो–अेक झाड. तरूय ती म्हजेकडेन अितलें हितगूज करता. म्हणुनूच म्हण्टा हांव. आमचे कितेंतरी ऋणानुबंध आसूक फावो. मृण्मयीचे लग्नाअुपरान्तचें दीस धांवत वताले. अुमेदीच्या ल्हारार बसून तें म्हजेकडेन येतालें, बसतालें.

' अेकान अेक गजाल हे म्हाका शिकयतात. म्हाका कळटा पुणून तांका तें पसंत नासता हें अशें आसूंक जाय– तें तशें अुपकरना. सांगता, तापना. पुणून म्हाकाच लज दिसता म्हाका कायच कळना कशें ? खंयच्या रंगाची साडी म्हाका सोबतली; खंयची सोबना, काकणां खंयच्या रंगाची घालचीं, फुलां कितलीं आनी कशीं माळची हें लेगीत हेच सांगतात. म्हाका कळनाशें न्हय, पुणून अितलो बारीकसाणेन हांवे केन्ना विचार केलोच ना, करचोच

पडनाशिल्लो. पुनवेच्या चांदन्यांत बसतलो जाल्यार खंय फिकट निळ्या रंगाची साडी जाय. चांदन्याकय रंग भरता खंय. रातच्या शृंगाराचे वेळार रंग... अमकीच लायट अमकेंच संगीत अितलेंच कित्याक सोन्याच्या धुंदेचीं लेगीत वर्णनां हांचेकडसून आयकूचीं. वाबाल्या सोन्यान... सोरो म्हळ्यार तकली अुसलपी मनीस हांव. पुणून हाणी सोन्याचेर दिल्लें भाशण– ताचे नशेचें वर्णन आयकतना, म्हाकाय दिसता हें खरें काय? खरें रे? म्हाका कांयच कळना कशें? ... पुणून हांव मुखांत आसा रे उपाट.'

दर दिसा अेकेक नवी गजाल तें म्हाका सांगतालें.

'हे जीवाण्याक कितले भितात रे. हासूक येता. वयर माळेवेली पेट उस्तिताले दिसता हे! हाताक थंड–थंड बुकबुकीत लागलें दिसता. केदी गवजी माल्ली रे हाणी. कितें जालें काय म्हूण हांव वयर धांवले. हांची भियेवन गुळी जाल्ली. हांवेंच पेट ओमती घातली. पळयल्यार माळूंड. माळंडाक लेगीत मारूंक भियेले मरे हे. हांवेच धाडायलो त्या माळंडाक.'

अेक दीस तर सामकें रडकुरें जावन आयलें खरें तर हांवूंय भियेलों.

'कितलीं गुबगुबीत शेवणी म्हज्यान पळवंक लेगीत जालें ना. पांच–स मारून हाडिल्लीं. दोळे–धापून मान अुडोवन पडिल्लीं बाबडीं. हाडून पेट्ल्याक घातलीं. म्हाका सामकें रडूंक आयलें. बंदूक घेतात आनी वतात रानांत. त्या मोन्या जिवांक कित्याक मारूं जाय.'

मोहनदासाक हांव वळखतालोंच. मृण्मयीक ह्यो सगल्यो गजाली नव्यो आशिल्ल्यो. म्हाका न्हय. मोहनदास हो स्वच्छंद; स्वैर–बंधनमुक्त जगपी मनीस. तो केन्ना कसो वागत म्हूण कोणे केन्नाच गणीत करचें न्हय. लग्नाची पिराय हुपून तामेरेन लग्न जालो ना. चाळीशीकडेन पावतरेच लग्न जालो. मृण्मयीक घेवन आयलो. त्यावेळार म्हाका अजापय दिशिल्लें .. ताज्यो कांय गजाली म्हज्याय कानार येताल्यो. तशें त्या गजालींत व्हडलें नवेंपण नाशिल्लें. ताज्या स्वभावाकच चिकटून आयिल्ल्यो गजाली त्यो, ल्हवू ल्हवू मृण्मयीच्याय कानार ह्यो गजाली येवंक लागल्यो.

'तूवें आयकलें मरे? लोकांक धंदो ना. कांय लोकांच्यान दुसऱ्याचें बरें पळोवंक जायना. हे खंय चलयांक घेवन भोंवतात. ल्हान ल्हान त्या तांचे कॉलेजींत येतात. कितेंय अुलोवप रेलो कांनी? सुतावेल्यान सर्गांत वचपी लोक हे. अेदें मेळ्ळ्यार पुरो. खरें कितें फट कितें, खात्री करून घेवपाची तांका गरज कितें पडल्या? हांव कॉलेजीक गेलें ना जायत– शाळेंतल्यावरीच न्ही तें. आमी मास्तरा-बरोबर आसनाशिल्लीं. ...आपल्या असल्या खबरांक लागून घरचे लोक कशे हुलपतात हे लोकांक खंय खबर... हांव तांचे कलेक वळखना जायत. मोगाक वळखतां. ते खरे बावनकशी. लोक कितेंय म्हणूं. ताणी म्हाका उपाट मोग दिलो. अेखाद्रे हांवूच कमी पडलें जायन. ते न्हय.'

मोहनदासाक नांवां दवरपी मनशांक मृण्मयी शत्रू लेख लागलें. आपलें सूख पळोवंक जायना जावन आपल्या घोवाक लोक बदनाम करतात अशी ताजी भावना जाली. अेकटेंच आशिल्लेवेळार तें लोकांक खेपत रावतालें नाजाल्यार म्हजेकडेन येवन दुकां गळ-यतालें. राग अुक्तायतालें. पुणून कशें म्हूण कोण जाणा ल्हवूल्हवू ताकाय लोकांल्या अुलोवपांत तथ्य दिसूंक लागलें. तागेले लोकांक खेंपप उणें जालें. तें आपलेमदींच घुसमटूंक लागलें.

'खरें कितें फट कितें म्हाका कांयच कळना जालां. लोक म्हण्टात तें फट म्हणूक गेल्यार अशेंय दिसना, अेकदोग न्हय, सगळेच लोक जेन्ना अशें अुलयतात तेन्ना फट कशें म्हणूं? कितें तरी तथ्य आसूंक जाय. म्हजेय नदरेंत अेकदोन फावट आयलां. दर्यावेळेर, हॉटेल–पाटर्यांनी हांचेवांगडा खंयचीय ना खंयचीय चली आसताच खंय. पुणून म्हाका आजूनय दिसता तांचो म्हजेवेलो मोग फटीचो न्हय. खरोच तो. हांचो म्हजेवेलो मोग पळयल्यार हांचेर कसलोय आरोप करपाचें धैर्यच जायना म्हाका. तशें केल्यार हावें हांचेर अन्याय केलोसो जावचो ना? हांचो मोग हांव वळखूंक पावली ना अशें जावचें ना? म्हाका विस्वास दिसता, म्हाका ते फटवचे ना रे तका दिसना? हांव मनान सामकें भोळें रे. म्हजेवरीच लोक दिसतात म्हाका... पुणून ते लागीं नासतना हजार विचार येता मनांत. विचारचें म्हूण थारायतां. रागय येता म्हाका. म्हजे भोळे पणाचो फायदो घेतात म्हूण. आपल्याक फावो तशी सांगातीण मेळ्ळ ना म्हूण बी तांचें अशें घडना मूं? हांव तांकां फावो तशी ना; खंत तांका आसा काय? पुणून अेक सांगता, मनीस ताज्या दोळ्यां

With Best Compliments From :

ONLY THE BEST MAKE HISTORY

HERSONS

(THE FIRST NAME IN SPRINGS)

Herson is known for quality, Thear of reliability has been by making product which meets The Sringent Standard of Original Equipment Automobile Manufacturers.

When You Need Springs Ask For Hersons.

Hersons (India) Steel Industries

OFFICE :
Nandanvan Apartments,
Luis de Miranda Road,
Margao-Goa

FACTORY :
Shed N. D2-26,
St. Jose de Arael,
Margao ndustrial Estate,
Margao Goa.

HERSONS Telex : 196-205
Phone : 22975 21246

बळवूक मेळटा, म्हजी अशी अेक धारणा. पुणून तांच्या दोळ्यांत केन्ना फटिगपणा दिमलीं ना. म्हूण विस्वास दिमना... भिरांतय दिमता. वातावरण अितलें दुशीत आसतना मनीस मात्सो तरी अस्वस्थ जावपाचो. जायना कमो? दोळे अुलोवंक जाय, अुलयनात कशे?'

ही घुसमट बरोच तेंप चल्ली. आनी अेक दीस ताणे म्हाका नवीच गजाल सांगली.

'काल हांवे हांका विचारलेंच. लोक अशें अशें अुलयतात. तुमचेविशी दुबाव घेतात. हे हांमले, हाणी म्हाकाच परतें विचारलें– लोक म्हणटात, कित्याक म्हणटात, तुका दिसना? हय, म्हजेवांगडा चलयो आसतात. सुंदर चलयो आसतात. तूं जाणा, म्हाका सौंदर्याचें पिशें तें. सौंदर्य दोळ्यांत साठयतना मनय प्रसन्न आसचें पडटा. चलयांच्या सांगातान म्हजें मन प्रसन्न आसता. सौंदर्य पियेतना म्हाका सौंदर्याचोय सांगात जाय आसता. ह्यो चलयो म्हाका तो दिसात. हांव त्या चलयांवांगडा नासतां हांव सौंदर्याच्या सांगातान आसतां. मनशाक अेक अेक पिशें आसता. म्हजेंय हें अेक पिशें म्हूण समज. हे भायर हांतूत आनी व्हडलेशें कांय ना. सामान्य मनशांक हें कळना. तांका दिसता फकत दादलो आनी बायल. तुका तशें दिसूं नजो –हांव कितें उलोवं? कशें उलोवं? पयलीं पयलीं हांवूय आसतालें हांचे सांगाताक. हे कितें कितें सांगताले. हांव हूं हूं करतालें. तांका बेजार येतालो आसुये. ते रोखडेच अुठून 'चल या घरा' म्हण्टाले. ल्हवूल्हवू तांचे वांगडा वचपाचें हांवेच उणें केलें. तेंच चुकलें ना मरे म्हजें? तशें न्हय, लोक कितें कितें अुलयतात तें आयकलें ना तुवें बऱ्यो चलयो नासतात खंय तांचे वांगडा. तसल्योच लोकांनी नांवां दवरिल्ल्योच आसतात खंय. हांचे वेळार लग्न जाल्यार भुरगींच १५–१६ वर्सांची जावपाचीं. आपली भुरगीं सोबसारख्या चलयांक घेवन... म्हाका कांयच कळना. हे अुलयतात तेन्ना हांगेलेंच खरेंशें दिसता, लोक अुलयतात तेन्ना लोकांलेंय पट्टा. म्हजे आनी हांचेमदीं १४ वर्सांचें अन्तर. हें अन्तर, म्हजें कलेंतलें मोटवेपण सगळेंच तांचेकडेन अुलयतना तांचे आनी म्हजे आड येता. खूब घुसमट जाता रे...

मोहनदासालें नांव मागीर मागीर खूबच गाजलें पेपरांनी वाजूं लागलें. आर्ट कॉलेजींतल्या चलयांकडेन तो अनैतीक संबंद दवरता, म्हूण कॉलेजींतल्यान ताका काडून अुडोवचें म्हूण कॉलेजय दोन दीस बंद अुल्लें. पुणून मोहनदासाचेर ताजो कांय परिणाम दिसलो ना. मयी तूं आयकता ती गजाल फट न्हय. हांवे ताजें अेक पोट्रेट काडिल्लें. खूब सुंदर जमलें. म्हज्या आनी ताज्याय नदरेंतल्यान पूर्ण धादोसकायेचो, साफल्याचो तो खीण आमलो. आमचें मीलन त्या साफल्याच्या धुंदेतच जालें. म्हाका तांतूंत अनैतीक कांय दिसना. आनंद त्या वेळार चंवरिल्लो. अशें घडपाचेंच. तातूंत वासना नाशिल्ली. नैतीक–अनैतीकतेचीं बंधनां नाशिल्लीं. तातूंत परमोच्य आनंद आसलो.

मृण्मयीचो गोंदळ वेगळोच आसलो.

'कलाकार म्हळ्यार मनीस न्हय रे? ताका नैतिकतेची–अनैतिकतेची बंधनां लागनात? मनीसपण व्हड काय कला व्हड? अेका कलाकारालें अनैतीक वर्तन म्हळ्यार परमोच्य आनंद. नैतिकता–अनैतिकता हाजेभायले कितें तरी? तूं कितेंय म्हण, म्हाका पटना हें. हय म्हणूंक मन तयारच जायना. हांव अशें शिकलेंच ना रे! म्हाका कलाकाराची नदर ना, मनय ना. आतां तूच सांग नीती म्हळ्यार कितें? अनीती म्हळ्यार कितें?'

गेल्ल्या १–६ वर्सांत मोहनदास ताजे चलयांविशींच्या वर्तनाक लागून जितलो गाजलो तितलोच ताजे चित्रांक लागूनय गाजलो. गेल्ल्या धाअेक म्हयन्याआदीं ताका फ्रान्साक वचपाची संद मेळ्ळी आनी मोहनदास हें वादळ पयसावलें. धाअेक म्हयने जाले तो थंयच आसा. दोन वर्सां ताचो थंय राबितो आसतलो म्हूण आयकतां. मृण्मयी हांगाच आसा. सध्याक सरकारचो मोठो भौमान मोहनदासाक फावो जाला. आपल्या गैरहजेरींत मृण्मयीन तो घेंवचो अशें मोहनदासान मृण्मयीक कळयलां. सरकारचेंय अेक पत्र मृण्मयीक आयलां.

'आजमेरेन हे सांगतात ताजेभायर हांव वागलें ना. तरूय हांचो भौमान घेवंक मात हांव वच्चें ना, कशें वचूं? हांगेलो प्रतिनिधी म्हूण हांवे वचपाचें. पुणून हांव हांची प्रतिनिधी कशें जांवक सकतां? हे अेक व्हड कलाकार. तांचे व्हडपण सोडच, तांचे व्हडपण समजुपाची नदर नाशिल्लें मनीस हांव. अेक अरसिक. कलाकाराचें विश्व खबर नाशिल्लें अेक सामान्य बायल. अेका असामान्य कलाकाराची प्रतिनिधी म्हूण कशें वचूं? ह्या कलाकारांतल्या मनशालीय हांव प्रतिनिधी जावंक शकना. नीती–अनीतीच्यो शिमो घालून घेतिल्लें आनी तांतुकच रावपांत धन्य समजुपी हांव. हांचो परमोच्च आनंद, सौंदर्याचो सांगात ही भाशाच नकळो हांव. म्हाका हे कलाकार म्हूण जशे दुर्बोध अुल्ले तशेच मनीस म्हणूनय. हांव तांची प्रतिनिधी कशी जावंक शकतां? हांव वच्चें ना... तुका अेखादो म्हजो हो निर्णय मानवना जायत .. तूं काय म्हाका कांय सांगूक शकना... अभिमानान हो भौमान स्विकारपाची म्हजी मनःस्थिती ना रे!'

–✿–

केंस गळून पडप

– डॉ. भिकाजी घाणेकार

हालींच्या तेंपार केंस गळून पडटात हें लक्षण खूब जाणाकडच्यान आयकूंक येता. दादल्यांचे ४० वर्सां वयर इल्ले इल्ले केंस गळतात. ताचें मुखेल कारण– बड म्हळ्यार ताज्या बापायचे आनी आजाचे केंस गळून पडटाले देखून हाजेय पडून तो खडो जावंक लागता.

केंस हे जावं दादल्याक वा बायलेक सोबितकाय दितात हातूंत इल्लोय दुवाव ना. पूण केंसांचें खरें काम म्हळ्यार जेन्ना कसलोय अपघात जावन तकलेक मार बसता तेन्ना हाजो परिणाम तकल्याच्या हाडांचेर उण्या प्रमाणांत करप. म्हळ्यारूच खडुच्या मनशाच्या तकलेर जर नाल्ल पडलो जाल्यार ताजो परिणाम ताज्या हाडांचेर चड प्रमाणात जातलो.

माथ्यार जे केंस आसतात ताजी वाड एकेक फावट भुरगें पिशवेंत आसता तेन्नाच जाता. तर केन्ना केन्ना भुरगें दोन वर्सांचें जातकचूच ताका तकलेक केंस येवंक लागतात.

चल्यांक तो १४ वा १५ वर्सांचो जातकच खमकेंत, ओंठावयर (मिश्यो) आनी लैंगिक इंद्रियांसरेन केंस येवंक लागतात.

चलयांक माधारण त्याव बयाचेर वा, ताचेपयलीं लैंगिक इंद्रियांचेर केंस येवंक लागतात. केंस गळून प टात हीं लक्षणां चड करून चलयांमदींच आयकूंक येतात हाजें एक कारण म्हळ्यार चले चड करून आपले केंस मारतात तर दुसरें कारण म्हळ्यार चलयांक लोखणाचो उणाव रगतांत चड प्रमाणात जावपाची शक्यता आसता.

कसलेंय चड तेंपाचें वा चड खर प्रमाणांत जावपी दुयेंस जालें म्हणटकूच केंस गळून पडणाची शक्यता आसता. देखीक मलेरीया वा हिंवताप वा कुलकुल्याचो जोर, टायफोयड वा दिसांचो जोर, टी. बी. वा बारीक जोर वा क्षयरोग, लेप्रसी वा कुश्टरोग वा महारोग, कॅन्सर, आदी.

केंसांची बरी नितळसाण राखप हें खूब गरजेचें. ती जर सारकी राखली ना जाल्यारूय केंस गळूंक लागतात. केंसांत उवो जावंक शकतात. केंसांची नितळसाण राखपाक सदांच न्हावंक जाय. वेगवेगळे तरेचीं तेलां वा शांपू जे बाजारांत मेळटात वा टिव्हीचेर वा रेडियोचेर जायरात दितात ते न वापरल्यार बरे. हाजें मुखेल कारण म्हळ्यार ह्या कांय तेलांक लागून वा शांपूक लागून केंस परते गळपाची शक्यताय आसता. हेर गजालींची जशी भेसळ करतात तशेच तरेन ह्या तेलांत भेसळ आसूंक शकता.

एक चली ११ वा १२ वर्सांचें जालें म्हणटकूच ताका मासीक पाळी येवंक लागता. ही पाळी ४० ते ४५ वर्सांमेरेन आसता. उपरांत ती वंद जाता. १२ वर्सां ते ४५ वर्सांमेरेन बायलेक तशेंच गुरवार बायलेक लोखणाची चड प्रमाणांत गरज आसता. कारण मासीक पाळींत रगत वता तशेंच गुरवार आसतना तिचे पिशवेंत (उटरस्) भुरग्याची वाड जाता. अश्या वेळार जर तिच्या जेवणाखाणांत लोखणाचें प्रमाण उणे जालें जाल्यार तिका पांडुरोग वा वा आनेमीया जावपाची शक्यता आसता.

मगळ्याक मेळपी पालेभाजी देखीक तायखिळो, आळूं, तेरें, मस्काची भाजी, कुड्डूकेची भाजी, अळसाण्याची भाजी हातूंत लोखण खूब प्रमाणांत आसता. केन्ना एक गुरवार बायल वा आनेमिया जाल्ली बायल रस्त्यावेल्यान वता तेन्ना चड करून पावसाच्या तेंपार तायखिळो सांगता 'आगे म्हाका खाऊ' पूण ती गुरवार बायल तें आयकना म्हळ्यारूच देव दिता आनी देंवचार नडटा.

केंस गळून पडटा तेन्ना लोखण आनी व्हिटॅमन्सी तशच कालसीयम हें चड प्रमाणांत घेतल्यार केंस गळपाचें उणे जाता,

बायलांमदी केंस वळवपाच्यो साबार तरा आसतात. विणी घालप, आंबाडो घालप, घोडयाची शेंपडी कशीं करप, पर्स कशी करप, आदी. केंस कुरळे करून घेवपाचो फॅशन हालींच्या तेंपार चड दिसना. पयलींच्या तेंपार एका बायलेचो घोय भायर पडलो जाल्यार तिचे केंस तुळतुळीत करताले आनी ती तांबडें वा धवेंच कापड माथ्यार पदर घेवन न्हेसताली.

दादल्याचें जावं वा बायलेचें जावं केंस हे तिचें व्यक्तिमत्व वाडोवंक शकता पूण ते बरे तरेन सारकी काळजी घेवन वळयल्ले आसूंक जाय. ह्या वेळार म्हाका म्हज्या मामाची याद जाता. आमगेर एक बोडको नांवाचो भुरगो येतालो ताका चेंस भरपूर आशिल्ले देखून म्हजो मामा ताका बोडक्या म्हणचो सोडून 'केश्या' म्हणटालो.

'रकानां' मास्तर आनी—

—अवधूत चोडणेकार

पणजेलागींच आशिल्ल्या त्या गांवांत ती मराठी शाळा आशिल्ली. पालास कशें आशिल्या एका गिरेस्ताच्या व्हडल्या घराच्या कंपांवडांतच एक आवट–हावस आशिल्लें. ह्या आवट–हावसाचो शाळा म्हणून उपेग करपाक त्या गिरेस्तान दिल्लें. सुमार चाळीस वरसांपयलीं हांव हेच शाळेंत शिकतालों. आमकां शिकयतालो एक वेंगुर्ला–सायडीचो मास्तर. ताचें नांव किदेंतरी 'रेवणकर' 'बिवणकर' अशेशें आशिल्लें. पूण आमी भुरगीं ह्या मास्तराक मात 'रडटां कामां नांय' मास्तर म्हणत. कारण हो मास्तर मस्ती करपी भुरग्यांक 'रूळा' (एक इंच व्यासाची २ फूट सांबायेची गुळगुळीत केल्ली वाटकुळी बडी) न फोडून काडटालो. भुरगी मार पडटकच बोबो हुयेली मारीत. पूण हो वाटकुळ्या तोंडाचो, मातसो मोठसार आनी मोटको मास्तर कणखर आडुतालो, 'रडटां कामां नांय.' मार खातकच दुखलें तरी सोंसपाचें, रडपाचें न्हय अशी अपेक्षा हो 'रडटां कामां नांय' (रकानां) मास्तर भुरग्यांकडल्यान करी.

'रकानां' मास्तराच्या शाळेंत शाळेच्या वेळार भुरग्यांचो कुलकुलाटूच चड आयकूक येतालो. 'मास्तर मला मारते', 'मास्तर. म्हाजे चिंचारे घेते' असले चित्रविचित्र मराठी भाशेतले विकलाप शाळेंत दुमदुमताले. हो 'रकानां' मास्तर सगळ्यो चारूय यत्ता (म्हळ्यार पयली ते चवथी मेरेन) एकाच हॉलांत शिकोवपाचें दिव्य करी. 'रकानां' मास्तर दत्तात्रयाचो भक्त आशिल्लो. बिरेस्तारादिसा तो सगळ्या भुरग्यांक आपलेबरोबर भजन म्हणपाक लायतालो, 'दत्तगुरु दास्य करूं पांय धरूंया, कवणरुप घेवूनी आम्ही विनवूया तया' अशेशें एक भजन तो मास्तर सुरेल आवाजांत म्हण्टालो ताची आजलेगीत याद जाता.

त्या गिरेस्ताचो एक नातेवाईक आशिल्लो. केशवबाब म्हणून. हो केशवबाबय त्याच प्रचंड वाडचार रावतालो. हो केशवबाब सामको फकाणेर आशिल्लो. तो आनी 'रकानां' मास्तर कट्टे इश्ट आशिल्ले. दर शेनवारा शाळा सुटल्याउपरांत केशवबाब आनी 'रकानां' इस्पिकानीं खेळटाले. शेनवारा केशवबाब बेगीन घरा येतालो. माळयेवयल्या गलेरेत उबो रावतालो आनी मोठ्याचान म्हण, 'मास्तर ! कावळा काळा असतो. परंतु तो पांढरेची कां हगतो ?' केशवबाबाचीं ही आवडती वाक्यां आयकतकच आमी सगळीं भुरगी 'खॉ' करून हांसतालीं. तेन्ना 'रकानां' मास्तर 'हंकानां' मास्तर जातालो. म्हळ्यार 'हंसता कामां नांय' असो व्हडलो धेंगसो भुरग्यांचेर घालतालो. आनी आमकां सगळ्यांक शाळेभायर लायनींन उबे रावून 'लाभ दोन, तीन चार' पासून परवचा म्हणपाक लायतालो. रकानां मास्तर मागीर शाळेच्या जनेलाकडे उबो रावून गलेरेर उब्या राविल्ल्या केशवबाबाकडेन ताण उलयतालो. 'काय केशवराव ! कसं काय' बी असली मराठी कातरतालो.

आमी परवचा उंचेल्या आवाजान दर शेनवारा म्हण्टा आसतनाच चुकनासतना एक पाद्री थंयच्यान वतालो. तो पाद्री धवो झगो आनी काळ रूशी चेंपे घालतालो. परवचा चवथेंतले दोग शिकयताले आनी हेर भुरगीं ते म्हण्टात तशेंच परत म्हण्टालीं. परवचा शिकोवपी भुरगी त्या पाद्रीक पळेनाफुडें 'ठ्ठो' म्हणीत आनी तो पाद्री आखांत

(पान १९ पळयात)

डायरेंतलीं पत्रां

– दिनेरकार

(१)

मोगाळ

नमस्कार.

मनश्याचें लग्न हो अेक ताच्या आयुश्यांतलो परिवर्तनाचो वा पुर्नजल्माचो भाग अशें तुका दिसना? तुजेंय लग्न जालां. लायफ बीफोर मॅरेज आनी लायफ आफ्टर मॅरेज हातूंत दिफेंरेंस आसा अशें तुका दिसना?

हांवे अेक गजाल पारखिल्या.

चलयो आंकवार आसतना म्हळ्यार पीरायेन वीस वर्सां ते चोवीस मेरेनच्यो, चलो भुरगो वळखीचो आसल्यारपसून केन्नाच हांसनात, उलयनात.

पूण तेंच चली लग्न जातकच अेका खिणाक बदलता. ते मुद्दाम पळोवन हांसतलें वा उलयतलें

आनी चल्याचें हाज्या उरफाटें.

लग्न जातकच तो इल्लो इल्लो आपल्या मित्रांपसून पयस रावता... हाची कारणां सोदूंक वमलो जाल्यार रिसर्चाचो अेक विशय जातलो.

घडये अशें आसूं येता, लग्नानंतर चलयेक स्वताक सेक्युयरड् (Secured) दिसता आसूं येता. जाल्यार चल्याक आपले मित्र आपल्या प्रायव्हेट लायफबद्दल कितेंय विचारत म्हणून भंय दिसूं येता. लग्न जावनच हाचें अॅक्स्पीरियन्स घेवचें पडतलें.

हालींच सुनापरान्तान हांवे म्हाताऱ्यांच्या बसींतल्या वागण्याचेर अेका तरणाटे चलयेन बरयल्लें पत्र वाचलें. आनी नंतर आयिल्ली प्रतिक्रियाय वाचली.

जें म्हाका आवडना तें दुसऱ्यान केलें जाल्यार ताका ऑफेंदेर करपाची आमकां अेक संवयच जावन पडल्या. तो मनीस तसो कित्याक वागता हाचो आमां विचारच करनात.

आतां हेंच म्हाताऱ्याचें धल्लें जाल्यार हांव म्हणन बसींतलो हो Behavior वाडपाक जायती कारणां आसात.

हालीं तेंपार सामान्य मनश्याची सॅक्श्युयरिटी भूक वाडल्या, पूण ती शमोवपाच्यो सोर्सीस मात वाडूक नात, कवा तातूतली रिस्क वाडल्या. विज्ञानाच्या दृष्टीन पळोवंक गेल्यार दादल्या मनश्याक ह्या सुखाची गरज पंचावन ते साठ वर्सां मेरन लागता. पूण भारतांत तरी ती ताका मेळता अशें म्हाका दिसना.

आमी मात्रशें विशयांतर करूंया.

हांवे सुरवातेक जें म्हळां... की मनश्याची वासनीक भूक वाडल्या ताचेफाटलें प्रमुख कारण म्हळ्यार दीसान दिस बायलमनशेचें जें विकसीत रूप दाखयतात ताचो इल्लो इल्लो वायट परिणाम म्हळ्यार ती अदिक सुंदरकायेन भरील्ली भोग वस्तू असो ताचो परिणाम जाता.

उदा. सिनेमानी पयलीं रेप सीन हो फकत आंगावेल्या कपड्याचो पिनील्लो कुडको दाखोवन Express करताले. आज तो प्रत्यक्ष सीन दाखोवन तें चड बरें अॅक्स्प्रेस करपाचो यत्न करतात.

जाण्टे मनश्याची अशे तरेची वागणूक हें अेक sickness हे नदरेन ताचेर विचार जावंक जाय. कारण फाल्यां आमीय जाण्टे जातले तेन्ना आमचेरय असोच प्रसंग येवंक शकता.

तुका कितें दिसता?

मोगाळ

(२)

नमस्कार.

हालीं तुका पत्रच बरोवंक ना. तसो मुडच नाशिल्लो. आज अेक वेगळोच विशय तकलेंत घुंवता. रागार जांव नाका आं.

तुंवे केन्ना 'गाळी' ह्या विशयाचेर विचार केला? हांवय करचो नाशिल्लों पूण पयर अेकदीस रिवण गांवात तिळसांजच्या वेळार पावलों. हे दीस हुरराकाचे. आनी वेळ तीळसांजेची.

आनी थंय कांय जाणांकडेन उलयतना नव्यो नव्यो गाळी रायकुपाक मेळ्ळचो. आमी जशें पाडपडिल्लो हें उतर मोगान वापरतात तशें ते लोक गाळी मोगान उलोवण्याभोतर भरसून उलयताले.

समाज ज्या करण्यांक लैंगीक विकृती म्हणून समजता ताचेरच ह्यो गाळी आधारिल्यो आसतात. सर्वसाधारण जी गजाल समाजाक मान्य आसा तिचेर आधारुन गाळी खंयच्याच भाशेंत आसच्यो नात.

ज्या वाक्यांत लैंगीक बोध आसा त्याच वाक्यांक गाळी म्हण्टात देखीक अरवळ, दळीद्रो, मालक्रियाद, पाडाघट्टणाचो ह्यो गाळी जायनात.

कोंकणी भाशेंत गाळ केन्ना जल्माक आयली ती खबर ना पूण हालीं हालीं नव्यो गाळी तयार जावूंक नात. आनी नव्यो तयार जातात काय ना हेंवूय बी खबर ना. चड करुन जायनात जावंक जाय.

पूण हिंदित जातात.

आनीक अेक गजाल म्हळ्यार कोंकणीत जितल्यो Descriptive गाळी आसात तितल्यो मराठीत वा हिंदित नात.

मनीस गाळी कित्याक मारता?

जेन्ना मनशाक राग चड अनावर जाता तेन्ना ताच्या तोणातल्यान गाळ भायर सरता.

अेक गजाल खरी, जो मनिस गाळ मारता तो जाणा आसता की गाळींत जें कितें आसता तें बीभत्स कर्माचें शब्दरुपान केलें वर्णन.

अेकादित तें उच्चारतकीर ताका अेक सॅटिसफॅक्शन मेळटा जावंक जाय वा ताचो Excitement देंवता जावंक जाय.

जॅराल उलयतना आमी जेन्ना गाळी वापरतात तेन्ना घडये जें कितें आमकां सांगूक जाय ताचो Extreme अर्थ Convey करपाचो आमचो हेतू आसता जावंक जाय– वा गाळी वापरतकच उलयतल्याक अेकेतरेचो Excitement येवन (किंवा किक सॉन्यान येता तशी) ताका आनी उलोवपाचो फोर्स वा आयडिया येता जावंक जाय.

पूण अेक गजाल खरी, गाळी अर्थशून्य केन्नाच आसनात. त्याखातीर वापरिल्या पात्रांचो अेक संबंध घडोवं येता जो घडलो जाल्यार समाज त्या संबंधाक अेक विकृत समजता.

देखीक गाळ ही आज्याचें आनी नातीचें जनरेशन हांच्या संबंधाचेर आधारीत आसची ना.

आनीक अेक गजाल, दुसरे भाशेंतली गाळ मारप आमकां सोपें जाता. पूण आमच्या मायभाशेतल्यान गाळी मारप कुस्तार जाता. ही गजाल चडकरून शिकिल्ल्या लोकांमदीं घडटा. कारण कितें काय ?

समेस्त वाचप्यांची चूक मागून पत्र सोपयतां पूण... तुका दिसना, मनश्यानच निर्मिल्या गाळींचेर विचार करून बरयल्यार कित जाल ? हांवें कितं कोणाक गाळी मारल्यात तर...?

–❋–

'रकानां' मास्तर आनी–

(पान १७ वेल्यान)

चाळवतालो. 'ठ्ठो' म्हळ्यार त्या पाद्रीक राग किद्याक येतालो हे हांव मात नकळ आशिल्लों. 'एकावर एक अकरा ठ्ठो' अशें परवच्या शिकोवपी भुरग्यांनीं म्हळें की सगळीं भुरगीं 'रिपीट' करीत 'एक.वर एक अकरा ठ्ठो.' आनी मागीर घे ! पाद्री चणो कसो तणतणटालो. पुर्तुगेजींत 'बच्यापैकीं' गाळी घालतालो.

'अरे हें कांय चाललंय ?" अशें 'रकानां' मास्तर आमकां म्हण्टालो. त्याचवेळार तो पाद्री मास्तराकय तापयतालो, 'ऑ भॉट ! मास्तोर ! तुच्या भुरग्यांक देख दी. ऑ सियोर केसोवा ! तूं किदें चोयता थूंय वोयर राबोन ? ह्या भुरग्यांक देख दीयाय.' पाद्री रकानां आनी केशवबाबाचेरूय तापतालो आनी फुडें चलूंक लागतालो.

'ऑ पातिव ! मातसो राव' केशवबाब पाद्रीक रावयतालो. पाद्री रावतालो. परतून वयर पळेतालो तेन्नाच केशवबाब 'एक, दोन, तीन...ठ्ठो' अशें आडुनालो. आमी परवचा म्हणपी भुरगीं आनी रकांनां मास्तर लेगीत केशवबाबाच्या ह्या 'ठ्ठो'क साथ दिताले आनी उपरांत पाद्री 'मे व्हॉल्त' करून झपाझप थंयच्यान नाच्च जातालो. ❋

मेसर्स अनंत नरसिंह नायक असोसिएटस्

मडगांव–गोंय.

▣ तार : बाबू

▣ फोन : ऑफिस : २२१७१, २१३३५
घर : २२३१२

❋

❋ मुडीस च्या ❋ प्रेस्टीज प्रेशर कूकर ❋

❋ क्वालिटी बिस्कीट आनी बाऊन्स दूध पावडर ❋

ह्या उत्पादनाचे गोंयचे एकमेव वितरक

संवसार म्हजो-तुजो

– समता रमाकांत नाईक मंगेशकर

त्या दोगांकय वेगळीं जावन चडांत चड तीन वर्सां जायत आयलीं. तीन वर्सां ती एकामेकांपासून पयस आसलीं. फकत कायद्यान सोडचीट दिवंक नासली इतलेंच. संगीता ह्याच विशयाचेर चितत रावतालें.

आठ दिसां फाटीं ताका विवेकाची चीट आयिल्ली तातूंत ताणे बरयल्लें 'मोगाळ संगीता, आयज आमकां अडेज ते तीन वर्सां जायत आयल्यांत आमी एकमेकांपासून पयसावल्यांत हें अशें कितले दीस चलतलें? आमी आतां कायद्याची वाट धरल्यार बरी अशे तुका दिसना? हांव तुका अशें बरयता म्हणन तूं कांचवेतलें. तूं समजतलें की हांवच तुका तोडूंक सोदतां, पूण तशे न्हय. म्हाका तूं जाय. आदलेभशेनच म्हाका तू प्रिय आसा. मरणाच्या दारांत लेगीत पावल्यार हांव फकत तुझोच आसतलो. पूण अशे कितले दीस तूं एकटें रावतलें? घडये घटस्फोट न मेळिल्ल्यान तुका दुसरें लग्न जावप शक्य जावचे ना. ते खातीर हांव तुका सोडचीट दिवंक सोदतां. तुजी जीण तूं खोश्येन दुसऱ्यावांगडा सारूंक मेकळें जातलें. पूण हांव मात म्हज्या निमण्या खिणामेरेन तुका विसरचों ना. घटस्फोट घेतलो म्हणून अंतस्कर्णां आमी तोडूंक शकतात व्हय? भावनेक घटस्फोट हें वखद जायना. घटस्फोट फकत कायद्याचें जैत मनाचें न्हय. आसूं, स्वतःची काळजी घे. तुका बरे मागून चीट सोपयता. (मानलो तर) तुजोच विवेक.

ती चीट वाचली आनी संगीताचे अंतस्कर्ण खऱ्यांनीच मुरगुटले. फाटले आठ दीस ताच्या मनांत वादळान धवळ घाल्लो. विवेक घटस्फोटाची नोटीस खऱ्यांनीच धाडटलो काय? ताका एकेकदां दिसतालें घटस्फोट कित्याक घेवचो? एकमेकांकडेन गांठ मारलेली ती कितें घटस्फोट घेवपाक? तरी मदी मदी ताचें मन बंड करून उठठालें. कित्याक घटस्फोट घेवचो न्हय? घेवचोच. कितें तें एकदां सडेतोड जावन वचूंदी. नाका हो घुस्मटमार नाका हीं चितनां.

पाच वर्सां पयली लग्न जाल्ले. पयली वळख, मागीर इश्टागत. इश्टागतीचें केन्ना मोगान रूप घेतले ते कळ्ळेच ना मागीर लग्न पळोवंक गेल्यार सगळ्यो गजाली ताकनिकेनच घडून आयिल्ल्यो. दोघांचेय सभाव वेगळे आसले. आवडीनिवडी वेगळ्यो आसल्यो आनी एकमेकांच्यो आवडीनिवडी सांबाळून संवसार चलय ना ताका खूब जड वतालें. लग्नापयली ताका हे गजालींची वळख करून घेवंक वेळच नासलो. एकमेकांच्या मोगान तीं सामकी धुंद जाल्लीं पूण जशी-जशी लग्नाची धुंदी देंवली तशी तशी तांका आपली नीवड चूक आसा म्हणपाचें कळून आयलें. केन्ना-केन्ना मन उसळी घेतालें. बंड करून उठतालें. एकंदर ह्या लग्नान दोगांय सुखी जांवक ना अशे तांकां मनांतल्यान दिसताले केन्नाकेन्नाय तीं जिबिवयली उतरां ओंठाभायरय हाडटाली.

संगीताक एक एक याद जाबंक लागली. अशीच एक दीस ताका बस चुकिल्याकारणान, ताच्या पयलीच विवेक येवन कपडे बदलून पेपर वाचत सोफार लोळत पडिल्लो. येवचे येवन संगीतान पदर खोवन रांदचे कुडींत घालून घेतले. ताणे पळयले विवेकान येवन सादो चा सुद्धा करून घेवंक ना. ताका भितरल्या भीतर राग आयलो. ताणे च्या करपाचे भगुणे गॅसार चडयलें. दोन कपा उदक घालून च्या करपाक देवरलो. च्या पावडर साखर घालून तें भायर आयलें, आनी मात्शी खुर्चेक फाट तेंकयली. इतल्यान तांचे शेजारची मिसेस सालेलकर घरांत भितर सरली. तिच्या हातान दोन नव्यो साडयो आसल्यो. तिणे त्यो साडयो घेवपाक संगीताक खूपच फोर्स केलो. संगीताकय तातूंतली एक साडी खूबच आवडली. गाढ निळ्या रंगाची ती साडी. ताका धव्या रंगाची ती बॉर्डर. ताका ती खूब घोस्ताक गेली. ताणे ती साडी हातांन घेवन विवेकाम्हऱ्यांत येवन विचारले, हांव घेवं ही साडी? काय बरो रंग आसा पळय. म्हजेकडेन असलो एकय रंग ना. इतल्यान भितरल्यान च्या खतखतून गॅसार रकिल्ल्याचो सळ्ळ करून आवाज आयलो. संगीता साडयो थंयच उडोवन एकदम भितर वचपाक उठलें. तसो विवेक तापून म्हणूक लागलो साडयेपरस त्या गॅसार रकता त्या च्याचो रंग पळय पयली. साडयो पळोवन पोट भरचेना. आनीक ही उतरां आयकून संगीताच्या आंगाक उजो पेटलो. दीसभर आपणे ऑफिसांत मर-मर मरपाचें. बॉसाचो उलोवणी खावपाची. ऑफिस सुटतकच येतना बाजार करून ही गाडी धर, ती गाडी धर, करून तकालस काडपाची तर घरांत एक मायेचो शब्दय मेळचो न्हय? सादी साडी घेवपाची जाल्यार ताका लागून असली उलोवणी? आपणे जोडून सुद्धा असो मानभंग करून घेवचो? ताका राग आयलो. ऑफिसात सुख ना ते नाच. हांगय सुख मेळचे न्हय? एक बरो मायेचो शब्द मेळचो न्हय काय म्हणता हांव तुमचेकडल्यान? कोणाच्या संवसाराखातीर त्रास काडटा हांव हे?

'कोणाच्या संवसाराखातीर? म्हज्या?' विवेकान तापून विचारले. 'तर कोणाच्या म्हज्या?' संगीताकय सगळें असह्य

जाल्लें. ताणेय नेटान विचारलें. तशे विवेकानय तापून म्हळे, ' तुका जर संवसाराखातीर त्रास काडपाचे ना जाल्यार सोडून दी ती नोकरी. सोडून दी हो संवसार. सोडून दी म्हाका. हांव एकटो जगूंक समर्थ आसां '. संगीता ताका पळयतच उरले. ताच्या तोंडातल्यान उतरांच भायर सरना जालीं. तें फडफडत रादचे कुडींत गेलें. गॅस पयलीच च्या रकून बंद जाल्लो. ताणे उरलेली च्या काडून मान्न्यांत रकयली. गॅस ऑफ केलो. आनी बेडरुमांत वचून खाटीर हुंदक्याहुंदक्यानी रडपाक लागलें. ताका दिसलेले बिवेक येवन समजयतलो. पूण तशे कांयच घडले ना. तो रातचो बॅडरुमांत आयलो. आपले उशे चादर घेवन वचून भायल्या सोफार न्हिदलो. हांगा संगीतानय थारायले. ' ना आता वगी रावप ना. जाता ते जावं. आता तर अती जावंक लागलां. हांव जोडून सुद्धा म्हाका ह्या घरांत वालोर ना जाता. सगळे सोसून हांव पिशे जावंक पावतलें. अपमानीत करून करून कोणामुखार केलें ? ते शेजारचे मिसेस सालेलकारामुखार ? जी बायल कोणालेय करपता काय म्हणून वास घेत आसता तिचे-मुखार ? कितें म्हणटली ती ? कितें दिसतले तिका ? विवेकाविशीं तिका हांव सदांच बऱ्यो बऱ्यो खबरी सांगता. विवेक म्हाका कितलो जपता हाची नाशिल्ली उदाहरणां सांगता. पूण आज त्याच विवेकान म्हाका तिचेमुखार तापोवप ? रातभर संगीताक न्हीद पडलीना. तें हे कुशीवेल्यान ते कुशीर वळतालें. जशी-जशी फांतोड जावंक लागली तशे-तशे ते आनिकय अस्वस्थ जावंक लागलें. सकाळचें उठून ताका तोंड दाखोवप म्हळ्यार आनीक अपमान. कारण ताणे मात लेगीत ताची समज काडपाचें मनिसपणसुद्धा दाखयलेंना. तें उठलें ताणे एक पेपर घेतलो. ताचेर बरयलें ' विवेकाक, आज तुवेंच जावन म्हाका हो संवसार जमना जाल्यार सोडून वचपाक सांगलां. हांव वतां पूण वतना अशे समज नाका की म्हाका संवसाराखातीर त्रास काडपाचे ना म्हणून, तशे अजिबात न्हय. तुवें दुसऱ्यामुखार केल्लो अपमान सोसूंक नजो जावन हांव वता. शेवटाक म्हाकाय स्वाभिमान आसा. हांव स्वतंत्र जगूंक सोदता. लग्नापयली आमी एकमेकांच्यो आवडी निवडी, केन्ना पळयल्यो नात. म्हणूनच आज ही पाळी आयली म्हजेर. तुमकां सोडून वचपी संगीता. '

ते घरांतल्यान भायर सरलें. सांगाताक कपडे आनी गरजेच्यो कांय वस्तू बॅगात भरून घेतिल्यो. ताणे खंय वचप म्हणपाचे ते थाराव नासले. पूण तरीकय ताचीं पावलां ताची इश्टिण, रेणूगेर पावलीं कांय दीस ते थंय रावलें. खूब प्रयत्न करून ताका बॉम्बे सर्विसेक कॉल आयले. ताका ती सर्विस मेळ्ळीय बी. आनी आदले नोकरेक राजीनामो दिवन ते बॉम्बे गेलें. विवेका पासून पयस. कारण ताका नाका आसल्यो त्यो यादी, तें जिवीत जें विवेकावांगडा जियेलें. थंय ते घर भाड्यान घेंवन रावंक लागलें.

तीन वर्सांत ताणे कितले तरी एकलेपण भोगलें. विवेक म्हऱ्यांत आसतना जे भोगूंक पडनासले तें ताका आता कळूंक लागले. एकटे एकसुरे बायलमनशेन एकटे रावप कितले कठीण आसता हे ताका कळून आयलें. तें एकटेच आपली जीण सारता. हेच निमित्त सगळ्यांक पुरो जातालें. शेजाऱ्या पाजाऱ्यांनी घालून पाडून उलयल्ली कुच्छित्री उतरां आयकून ताचे कान विटलेले. ऑफिसांत, वाटेर घरा येतना तर ताच्या भोंवतडी कांय दादले भोंवडयो मारताले आचकट-विचकट उलोवन फकाणा करताले. कांय वेळार हे सगळे सोसूं नजो जावन संगीता खूब रडटालें ताज्या मनांत विचार येतले ते आपणाकच प्रस्न विचारनलें. आपणे अशें कित्याक केले ? हांवे संवसाराक तडजोड कित्याक केली ना ? अशा खूब बायलांचे विचार स्वतंत्र आसात. पूण त्यो आपल्या संवसाराखातीर घोवाकडेन जमोवन घेनात ? हांवच घर सोडून कित्याक आयलें ? त्या वेळार तो निर्णय बेठोच घेनलो हांवें. संवसार हो खरे म्हळ्यार दोगांयचोय आसलो. फकत एकल्या विवेकाचोच नासलो. पूण हावे दळदिव्यान त्या संवसाराक सुद्धा वेवारपणान जोखून पळयलें. कसली अवदिसा येवजली म्हाका ? कितें मेळ्ळे म्हाका अशें करून ? येवजितां येवजितां संगीताक एक एक याद जावंक लागली.

तांची पयली अिश्टागत. मागीर तो मोग, ताच्या उपरांत सगळ्यांचो विरोध. त्या विरोधाच्या भकीक पडनासतना, केल्लें तें रजिस्टर लग्न. मागीर ते लग्नाचे कांय नवें दीस. जमयिल्ल्या पैशांचे घेतलेलें ते घर, घराफुडें ल्हानशी बाग, ती झाडां ताच्या पयल्या वाढदिसाक विवेकान हाडलेलो कलर टि. वी. दुसरे वाढदिसाक तो हप्ते भरून हाडलेलो फ्रिज. ताका आता एक एक याद जावंक लागली. आपले स्वताचे हें सगळे वैभव आसतना हांव हांगा भाड्याचे कुडींत हे त्रास कित्याक काडटां ताका मदी-मदी रडपाक येतालें कांयच सुचनासलें तकली जड जाताली. कित्याक आपणें हो हट्ट चलयला ? किते मेळटले म्हाका ? किदे जातलो म्हजो फुडार ? उरलेलें सगळें आयुष्य अशेच एकटे एकसुरेच जियेवप ? ह्या सगळ्यांक हांवूच एकटे जापसालदार आसा. विवेकाचो हातूंत कांयच दोश ना ? हावेच चड ओडून धरलें. निमाणे तडजोडीबगर, संवसार जातात व्हय ? विवेकानय म्हज्या हट्टा फुडें खूब तडजोड केल्ली. खूब मोगय करी तो म्हजेर. हांव बरे ना जायत तर मुजरत लीव घेवन म्हजे सेवेक घरा रावतालो. हांव बरे जाय म्हणसर हाल नासलो, खूब काळजो घेतालो. संगीता एक एक येवजोताले पूण सट् करून आंगार पाल पडिल्लेवरी ते सगळे विचार फांकडून उडयतालें.

ताचे मन परत परत घुंवतालें, म्हणटालें, अडेच वर्सां काय जायना, रावलांच हावे एकसुरें, फुडलें सगळे आयुष्य एकटेच रावतलें विवेकाक जाय जाल्यार करू दो कोणायकडेन दुसरे लग्न. हांव मात जावचें ना. आनी आता फाटीय घेवचे ना म्हजे उतर. एकसुरी जीण सारूंक समर्थ आसा हांव. हांव किदे जोडीना व्हय तर ? आनी चूक कितें फक्त म्हजीच आसली ? हांव प्रामाणिकपणान म्हजी चूक मानता पूण ताणेय चूक मानूक जाय काय ना ?

आनी एक दीस संगीताची मैत्रिण रेणू बॉम्बे आयलें. ताचे-कडल्यान संगीताक कळ्ळे की विवेक हाती एकटो-एकटोच रावता. ताका स्वताच्या कुडीचे भान ना. खाड वाडलां, सादूभशेन भोंवता. ऑफिसांत येता वता पूण कोणाकडेन कामाबगर चड उलयना. जे उलयता ते मेजून फकत कर्तव्याक धरून कामापुरतें. एक

दीस रेणू तांगेर गेल्ले कडेन रेणून पळयले की ताचे घर अस्ताव्यस्त पडला. किने तरी आपल्या अ वूणच रांदून जेवता. कपडे जमनींर हेवटने तेवटेन पाताळल्यात. सिगरेटी तर हालीं इतल्यो ओडटा घरभर पोतेरां पडल्यांत. जेवणाखाणाची आयदनां मान्न्यात चार चार दीस लोळटात. घरांत गेल्यार घर खावपाक आयिल्ल्याभशेन दिसता. एके तरेची उबसाण मारता. एका वेळार होच विवेक कितलो व्यवस्थित टापटीप रावतालो. शर्टाक चुरपाक दिय नासलो. पूण आता तोच विवेक सुरकुत्यो पडिल्ले बुशशर्ट घालतालो. इस्त्रीचो तर वास नासलोच कपड्याक आनी हें पळोवन रेणूक वायट दिशिल्लें. ते वेळांत वेळ काडून संगीताक मेळूंक आयले. ताच्या तोंडातल्यान हे सगळे आयकून संगीताक खूब वायट दिसले.

हांव जगता ते तरी जीण गो रेणू. एकटे बायलमनशेन, जगप म्हळ्यार कोंबडेचे पिलावरी. केन्ना घोण झोपय घालीत सांगपाक जायना. दिसानदीस नव्यो नव्यो वासनावलेल्यो, नदरो तोपतना म्हजो कितलो घुस्मटमार जाता तें फक्त म्हाकाच खबर आसा. एकटे बायलमनशेचेर चोची मारपाक हजार कावळे टपून बसलेले आसतात. बरे प्रत्येकाच्या तोंडातल्यान सुटप म्हळ्यार सीतेन अग्नीदिव्य केल्लेभशेन. पूण आज मेरेन हांवे देवाच्या नावाचेर म्हजे म्हाका सांबाळला. पुण ना गो रेणू आता हे असह्य जालां. म्हाकाय आधार जाय म्हज्या विवेकाचो, माका आता संवसार जाय सो दिसता. म्हजो संवसार तो त्यावेळार सोडील्लो तो संवसार एकटचा विवेकाचो नासलो. तर म्हजोय आसलो. आमचो दोगांचोय आसलो. तो संवसार हांवे बळयां पाड घालो. संगीता भावूक जालां ते पळोवन रेणू तांका दोगांकय परत एकठांय येवपाचो सल्लो दिवन परत पुण्यात गेले. तेन्ना संगीताकय आपणे परत वचचे दिसले. पूण ताच्या स्वाभिमानी सभावाक ते सोबा दिनासले. कारण फाटल्याआठ दिसापयली ताका विवेकाची चीट आयिल्ली. ती वेगळेपणाची भाषा वाचून ते हय न्हय शे भितरल्यान कांचवेल्लेच. एक मन म्हणटाले, विवेक घटस्फोट दिता तर घे. तर दुसरे मन म्हणटाले, गेली तीन वर्सां एकटे भोगत आयिल्ली जीण विसरले हय गो तूं ? भितरल्या भितर ते देवाची मनधरणी करताले नोटीस येयना जाल्यार पुरो. हे उघड-उघड दिल्ले एका तरेचे आव्हान ताका सोसचे नासले. त्यापरसय जल्मभर एकमेकांकडेन न उलयता रावप मानवले. पूण न्हय अशे. आता हय-न्हय शी रेणू येवन वचत पासून परत एकठांय जावपाची सपना ते रंगयताले पूण नोटीसेची कुणकुण मनांत आसलीच.

आनी अकस्मात एक दीस संगीताक तेलेग्राम आयलो. ' विवेक सिरीयस ' स्टार्ट इमेजियेटली. रेणून धाडिल्लो तेलेग्राम वाचून तर ताच्या हातापायांतले बळगे गेल्लेवरीच जालें. तेच स्थितींत ताणे ऑफिसांत लीव धाडली. आनी सोमतें पुण्यांक ग्यलें. रेणूक बरोबर घेवन संगीता हॉस्पीटलांत आयलें. अकस्मात तो दुयेंत पडील्लो. ताचे जेवण खाण वेळार जायनासल्यान, आरोग्य साप्प इबाडिल्ले. आपणे केल्ले ल्हानशे चुकीन संगीता घर सोडून वतले हे ताणें येवजू नासले. जायते फावट संगीताक परत आफोवचे अशे ताका दिसतालें. पूण तशे घडनासले. ताच्या यादीन तो रात-दीस तळ मळतालो. हाली-हाली तर ताणे जेवण-खाण साप्प सोडील्ले. संगीता घरांतल्यांन भायर मरपाक अग्पूणच कारणीभूत आसलो. ही खंत ताका रात दीस सतयतालो. आपणे जर ताका संवसार सोड म्हणूंक नासले, तर ते केन्नाच वचचे नासले. खरी चूक आपलीच आपणेंच ताक नाका जाल्ले उलयले अशे रेणूंक सांगून तो ढसढशीत रडपाक लागलो. रातदीस हेच येवजून येवजून तो अकस्मात दुयेंत पडील्लो. संगीता आता आपल्याक केन्नाच माफ करचे ना. ते आता आपल्यासरी केन्नाच येवचेना अशे ताका दिसतालें.

संगीता हॉस्पीटलांत आयले. विवेकाकडेन पळोवन ताका खूप वायट दिसलें. तें तशेच विवेकाच्या कुशीन पडून रडपाक लागलें. अडेच-तीन वर्सा उपरांत आजच ती एकमेकांक मेळिल्ली दोघांनीय एकमेकांक पळयले.

' किदे दशा जाल्या तुमचीं ही ? अशी दशा किदयाक म्हणून करून घेतल्या ? आदले ते तुमीच आसले हे कोणाक सांगून सुद्धा खरे दिसचेना. ' संगीतान कळवळून म्हळें.

' हय संगीता. तो आदलो हांव न्हय. हांव आता बदलला गो. पुराय बदललां. त्यावेळार चूक घडून तुका हांवे नाका ते उलयले. म्हणूनच आज हांवे हे प्रायश्चित घेतलां. म्हाका क्षमा कर संगीता हांव चुकलों. त्या वेळार हांवे तीं उतरां तोंडातल्यान भायर काडूंक नाका आसली गो '

' वोगी रावात. चड उलोवं नाकात. जाल्ले जावन गेले. खरे म्हळ्यार म्हजीय चूक आसली. आमचो दोगांचोय संवसार हे म्हाका तेन्ना कळ्ळें ना. मागीर कळ्ळें. वेलीर फुलां फुलचे पयलीच आमी ती तोडली.

' हय संगीता हांवच चुकलो. संवसार दोगांचोय आमचो तेन्ना म्हाका तुजे मोल कळ्ळे ना. पूण गेली तीन वर्सांत खीणा-खीणाक म्हाका तुजें म्हत्व कळून चुकले. बायलमनशे-बगर घराक सोबा येना हेय कळून आयलें. बायलेचें घरांत हांसते मुखामळ जर नासत तर दादल्यांचे कर्तुत्व शुन्य आसता गो. आता आमी दोगांय जगुया. आमच्या आनी जातल्या भुरग्यांबाळांच्या संवसाराखातीर. म्हाका क्षमा कर. अशें हांव परत तुका तोडून केन्नाच उलोवचो ना गो.'

' आता वगी रावात न्हय. चूक तुमचीच नासली. म्हजीय आसली.' संगीतान ताका थारायत म्हळें.

' तुमच्या दोगांच्याय संवसारांत तुमी दोगांय चुकली अशे भमजात आनीक जाल्ले विसरून वचात आतां.' ताचे दोगांचेय जाल्ले मिलन पळोवन रेणून भरलेल्या गळ्यान म्हळे. आनी दोगांयचे हात हातांत दिवन तें भायर गेलें.

-✿-

कण्णगी

– अभयकुमार

म्हासती कण्णगी म्हळ्यार निश्चेव आनी ताकद हांचे प्रतीक ..शिल्ली बायल. ती जिवीतभर फकत अन्यायाआड झुंजली. तिचो आपल्या घोवाचेर खूब्ब मोग. ती म्हान पतिव्रताच आसली. तामीळनाडूत कण्णगीक बायलांचे दैवत मानतात. तामिळनाडंतल्या वंजीनगर गांवांत जायतीं पोन्नी देवळां आसात. तांतले एक कण्णगी देवीचे. हांगाच न्हय तर हेर जायत्या गांवानी कण्णगीची देवळां आसात. हांगसल्ल्यो श्रद्धाळू बायलो कण्णगीक खूब्ब मानतात आनी दर वर्सा व्हडा भक्तीन कण्णगीची जात्रा जाता. कण्णगीचें चरित्र सुंदर आनी अजापाचें आसा. दुसऱ्या शेकड्यांतलो म्हाकवी इळंगो अडिगल हाणें बरयल्ल्या 'शिलप्पदिगारम' ह्या म्हाकाव्यांत तिची कथा सांगल्या.

भारत देशाक पुराय संवसारांत पूण्यभूंय म्हूण नामना मेळ्ळ्या. त्या काळार दक्षिण भारतांत चेर, चोल, पाण्ड्य बी जायतीं राजघराणीं आसलीं. तांतलें चोल राज्य एक प्रगत आनी नावारूपाक आयिल्लें राज्य आसलें. चोल राज्याची राजधानी कावेरीपट्टणाक, चेर वाठाराची वंजीनगर हांगा जाल्यार पाण्डय राज्याची मदुरा गावांक आसली. कावेरी न्हयचे देगेर आशिल्लें कावेरीपट्टण हें नगर धनधान्यान गिरेस्त आनी दक्षिण भारताचें भूषण आसलें. ह्या नगरांत मानायगन नांवाचो एक गिरेस्त बेपारी रावतालो. ताका कण्णगी नांवाची एकली एकसुरी धूव आसली. ती दिसूंक भोव सोबीत आसली तेचवरी बुद्धीन तल्लख आसली तिचो स्वभावूय गुणी आसलो. सगळ्यांक जाय-जायशीच आसली ती. तिचें तोंड सदांच प्रसन्न आसतालें आनी वाणी गोड बरी.

त्याच नगरांत माचात्तुवान नांवाचो धार्मिक वृत्तीचो एक वेपारी रावतालो. तो दानधर्म बी खूब करतालो. लोक ताका कर्णाची उपमा दितालें. ताकाय कोवलन नांवाचो एकलो एकसुरो पूत आसलो. तोय सोबीत, बुद्धीमान आनी गुणी भुरगो आसलो. तो बापायाक ताच्या वेवसायांत मदत करतालो तर, एका शुभ-म्हुर्तार कण्णगी आनी कोवलनाचें व्हडा दबाज्यान लग्न जालें. जायते गिरेस्त लोक, वेपारी बी तांच्या लग्नाक हाजीर आसले. न्हवरो-व्हंकल दोगांय एकमेकांक फावशी आशिल्ल्यान ह्या लग्नान सगळ्यांकच खोस जाली. तांका जायत्यो केळवणी मेळ्ळ्यो. चोलराजा मावण्णकिल्ली हाणेलेगीत तांका केळवण धाडिल्ली.

थंयचे परंपरेप्रमाण कोवलनच्या आवय बापायन नव्या जोडप्याखातीर एक सोबीतशें घर बांदून दिलें. ह्या घरांत सगल्यो सोयी आसल्यो. तांचेकडेन पयशे आसले आनी कितें जाय नाका तें पळोवंक नोकरचाकर आसले. कोवलनच्या सभावाक लागून लोक ताचेकडेन यो-वच करीत आसताले. प्रसन्न आनी हांसऱ्या तोंडान कण्णगीन सगळ्यांक आपले केलें. ती आतां आपल्या स्वताच्या घरांत घोवावांगडा खोश्येंत रावंक लागली. कण्णगी घोवाचे सेवेंत मग्न आसताली. कोवलनाक कसलोच त्रास जावचो न्हय म्हूण वादुरताली. घरांत येवपी सोयऱ्यांक काळजान-सावन येवकार दिताली. गरीबांक मदत करूंक तिका खोसूच जाताली. कण्णगी त्या नगरांतल्या सगळ्यांचीच आवडटी जाल्ली. तिच्या वागपान, हांसून-खेळून दीस सार-पाच्या वृत्तीक लागून ती जशी कावेरीपट्टणाची राणीच जाल्ली म्हळ्यार जाता. एक आदर्श बायल म्हूण लोक तिका वळखताले. कण्णगी-कोवलनाचो संवसार सुखान चलतालो तांच्या आवय-बापांयक तें पळोवन खोस जाताली. पूण कण्णगीचें दैव कितें वेगळेंच आसलें.

x x x

दर वर्सा कावेरी नगरांत इन्द्रोत्सव व्हडा थाटान जातालो. अठ्ठावीस दीस चलपी ह्या उत्सवांत नाच, संगीत बी कार्यावळी जातालो. पळेतल्याक दिस कावेरी नगरांत दिवाळीच आसा. आपणाल्या राजाक धन आनी जैत मेळचें अशी सांगणी राज्यांत लोक इंद्राकडेन करताले. त्यावेळार इंद्राची पुजा व्हडा भक्तीन जाताली. इंद्राचे चांदीचे मुर्तीक कावेरी न्हयच्या उदकाचो म्हाभिशेक करताले. उपरांत इंद्रदेवाची पालखी गांवच्या रस्त्यावेल्यान भोवंडायताले

आनी देवळांत व्हरून प्रतिश्ठापना करताले. उपरांत वेगवेगळ्या कलांचे म्हयनोभर प्रदर्शन चालतालें. ह्या इंद्रोत्सवाक लागून कला, नाच, संगीत, साहित्य हांका बरेंच प्रोत्साहन मेळटालें देखून देशाच्या वेगवेगळ्या वाठारांतले लोक हातूंत भाग घेवंक येताले आनी आपणाली कला लोकांमुखार दवरताले. तांका राजमान्यता मेळून तांची प्रतिश्टा वाडटाली.

त्या गांवात चित्रापती म्हणून एक प्रसिद्ध कलाकार घराणें आसलें. ताची कीर्त दक्षिण भारतांत सगळेकडेन पाविल्ली. चित्रापतीक माधवी नावाची धूव आसली. ती नाचांत निपूण आसली. तेचवरी संगीत आनी भरतनाट्य लेगीत जाणटाली. ल्हानपणासावन तिका हातूंत गोडी आसली एकसारको अभ्यास करून आनी आपले कलेचे जायत्या जाग्यार कार्यक्रम करून तिणे बरेंच नांव जोडिल्लें. चोल राजामुखार आपले कलेचें प्रदर्शन करचें, इंद्रोत्सवांत नाचचें आनी राजाकडल्यान शाबासकी मेळोवची ही तिची जायते दिसांची इत्सा आसली आनी तिणे ते नदरेन तयारीय केल्ली. तिका ती संद रोखडीच मेळ्ळी. इंद्रोत्सवांत भाग घेवचेखातीर तिका राजालें आमंत्रण आयलें.

माधवीचो नाच ह्या इंद्रोत्सवाचें आकर्शण थरिल्लो. चोल राजाचो म्हाल वैभवान भरिल्लो. नावाजत्या शिल्पकारांनी ताची रचणूक केल्ली. हांगा आवाज गाज नासलो. दर अेकाक नाच स्पश्ट दिसतालो. आयकूंक येतालें उजवाडाची येवजण तर अशेतरेन केल्ली, खंयच सावली म्हण पडनासली. तो रंगम्हाल पळोवंक लोकांची सदांच गर्दी आसताली. आज तर माधवीचो नाच पळोवंक जायते पवसुल्ल्यान लोक आयिल्ले नगरांतले ल्हान–व्हड सगळे हाजीर आसले. चोलराजा आयलो तशे सगळे उठून उबे रावले आनी राजा शिंवासनाचेर बसतकूच सगळे सकयल बसले.

थरिल्ल्यावेळार भरपूर भांगरा–शिंगरान नटलेली माधवी रंगमाचयेर आयली. मृदंगाच्या तालार तिणे वेगवेगळे नाच लोकांमुखार दवल्ले. लोक अजापभरीत नदरेन तिचे नाच पळेतले. ह्या लोकामदी कोवलनूय आसलो तो तर माधवीच्या नाचान पिसो जालो. पळेतल्यानी तोंडांत बोटां घालीं. तर कोवलन तिच्या मोगानूच पडलो. दोगांच्योय नदरो एकमेकांक मेळ्ल्यो. मनां जुळ्ळीं. तोंडार मुमुरखेंच हांसप फुल्लें. नाच सोपलो. चोलराजान माधवीचो भोवमान करून तिका इनाम दिलें. लोकांनी ताळयो मारून तिची तोखणाय केली आनी तिका भेटी दिल्यो. कोवलन हें पळेतालो. नाच सोपचोच न्हय अशें दिसतालें ताका. तो एकदम भानार आयलो. माधवी आपणाक मेळचीशें ताका दिसलें आनी तशेंच घडलें. चोलराजाकडल्यान इनाम म्हणून मेळिल्लो हार तिणे विकूंक काडलो आनी म्हळें, ह्या हाराच्या मोलाचे दुपेटीन पयशे दिवन जो कोण हो घेतलो ताका आपूण मळ घालतलीं. माधवी खूब जाणांचे नदरेंत गेल्ली पूण हाराचें मोल खूब आसलें देखून जायते जाण फाटीं सल्ले पूण कोवलनाक मात खोस जाल्ली. तो घरचो गिरेस्त आसलो आनी ताका माधवी आपली जावचीशें दिशिल्लें. म्हण्टकूच तो फाटीं कसो सरतलो. ताणे फाटफुडो पळेनासतना त्या हाराचें मोल दिलें आनी माधवीसयत हार घेतलो. तो माधवीचो घरकार जालो. पयशांचे धुंदीन तो कण्णगीक विसल्लो. कोवलनान तोच हार परतो माधवीक भेट दिलो. माधवीक खोस जाली. तिणे तो हार घेतलो आनी आपल्या घरकारावांगडा ती कावेरीनगरांत रावंक लागली. मोग. पिश्या कोवलनाक कण्णगीची मातूय याद जाली ना. उरफाटें तो आपले दीस माधवीचे सेवेंत घालोवंक लागलो.

x x x

जायते दीस गेले. कोवलन आज येतलो, फाल्यां येतलो अशें कण्णगीक दिस पूण फुकट. कोवलन परतो आयलोच ना. कण्णगीक भोव वायट दिसलें. कोवलनाचे यादीन तिका कांयच रुचना जालें. ती दिसान दीस आंग सोडूक लागली. आपलो साज तिणे काडून उडयलो. ती मोनी रावक लागली जाचेर तिणे जिवामाड मोग केल्लो त्या कोवलनाची याद काडून ती रातदीस रडूंक लागली. धवे कपडे घालून ती संन्याशिणीवरी जिवीत जगूंक लागली. तिणे आपल्या नशिबाक दोश दिलो पूण घोवाक कांयच म्हळें ना. ताचें बरेंच जावचें अशें सदांच तिका दिसतालें. ती धीरान चित्त शांत दवरून हें दुख्ख सोसूंक लागली. तिणे आपलो सगळे वेळ देवाचे सेवेंत काडूंक सुरवात केली.

हेवटेन कोवलन माधवीचो संवसार सुखान चलतालो. तांका एक चलीय जाली. तिका नांव कितें दवरचें हो प्रस्न तांचेमुखार आसलो. बारशाचो दीस उजवाडलो. कोवलनाक एकदम ताचे आवय बापायन सांगिल्ले गजालीचो उगडास जालो.

'एकदां कोवलनाचे पूर्वज पातमारीन प्रवासाक गेल्ले

आसतना दर्याक मोड आयलें. पानमार बुडटाशी दिसूंक लागली. त्या मोडांतल्यान वांचय म्हूण ताणी आपले कुलदेवीक उलो माल्लो आनी अजाप म्हळ्यार देवीन तांकां ते संकश्टांतल्यान सोडयले. तेन्नाच्यान कोवलनाचे घरचे ते देवीचे भक्त जाल्ले.' आनी कोवलनान आपले धुवेक देवीचे नांव दवल्लें– मणिमेखला. भुरग्याच्या जल्मान कोवलन माधवीक मळवाक हात तेकयल्लेवरीच दिसलें. तांचे संवसारीक दीस खुशालकायेन वचूक लागले.

जायते दीस गेले, वर्सा गेलीं. एकदां माधवी–कोवलन इंद्रोत्सवावेळार दर्यावेळेर भोवंक गेल्लीं. शेंकड्यांनी लोक त्यावेळार थंय आयिल्ले. हांगांच कावेरी दर्याक मेळटाली. सरिता–सागराचें तें मीलन पळोवन कोवलन खोश्येन नाचूं लागलो. माधवीलागी वीणा आसली ती घेवन तो गावंक लागलो. वीणेच्या झंकारावांगडाच ताचो आवाज गाजतालो. तो कावेरींचे वर्णन बायल आनी दर्याचें दादलो म्हूण करून तांच्या एकचाराचें चित्र आपल्या उतरांनी रंगोवंक लागलो. माधवीच्यान रावंक जालें ना. तिणें चोलराजाची स्तुती गावंक सुरवात केली. तातूंत चोलराजाची शक्त–बुद्ध–गूण हांचे वर्णन आसलें. तें पद आयकून कोवलनाक दिसलें माधवीचो दुसऱ्या कोणाचेर तरी मोग बसला. ताचें मन हाल्लें. माधवीचो आपणावेलो मोग सोंपलो अशेंच दिसून तो माधवीकडेन कांयच उलयनासतना रागान तांबडो जावन थंयसून गेलो. गावन जालेउपरांत माधवीक जेन्ना हें समजलें तेन्ना तिणें रडून आकांत केलो. ती काळजांतसावन कोवलनाचेर मोग करताली. तिका सदांस दिसतालें कोवलन परतो येतलोच. पूण कावलन गेलो तो गेलोच. तो मेळटलो हे आशेन माधवी दीस काडटाली. ताच्या ना जावपाच्या दुखान ती दिशींदिशीं सुकत गेली.

x x x

बाबडी कण्णगी दुखी जिवीत जगताली एके रातीं तिका एक भयानक सपन पडलें. त्या दिसा तिची एक इश्टीण देवंदी तिचेकडेन आयिल्ली तिका कण्णगीन आपलें सपन सांगलें 'काल हांव आनी म्हजो घरकार एका राज्यांत गेल्लीं. थंय म्हज्या घरकाराचेर चोरयेचो आळ घालून ताका जिवानिशीं माल्लो. हें सगळें हांवे तिडकून राजाक सांगलें. राजान म्हज्या घरकाराक मातूय विचार करीनासतना माल्ला हें परत परत पटोवन सांगले पूण राजान मानलें ना. निमाणें रागान हांवे शाप दिलो आनी पुराय गांव उजा लावन जाळ्लो. निमाणें हांवे जीव दिलो आनी सर्गांत घरकाराम्हज्यांत गेलीं.

देवंदीन म्हळें, 'हे सपन सामकें अशुभ. कितेंतरी वायट घडपाचें आसा म्हणपाची सुचोवणीच ही. तुवें देवाक सांगणे केल्लें बरें. आजूच तूं कावेरी संगमावेल्या कामदेवाच्या देवळांत वच आनी तांची पुजा कर. देवाचे दयेन तुका कोवलन मेळटलोच.'

म्हजो घरकार होच म्हजो देव ताका सोडून हेरांची पुजा हांवे कित्याक करप? म्हजें ध्येय तें हेंच. हांव तें मरसर पाळटलीं. हांव कोवलनची घरकान्न. बापूय, आवय, भाव, पूत हे सगळे आपापल्या भाग्याप्रमाण रावतात पूण घरकान्न मात सगळेतरेन घरकाराची सहचरी आसता. ताच्या पापपुण्यांत तिचो सारकोच वांटो आसता. बायलेच्या पावलान घोवाक भाग्य प्राप्त जाता बायलांचो आधार म्हळ्यार घोव. म्हजो घोव म्हजेम्हज्यान ना म्हणजेच हांव निराधार. पूण हाचो अर्थ असो न्हय की हांव घोव सोडून दुसऱ्या कोणाक पुजतलीं. ना म्हज्या न शबांत आसा तेंच घडटलें. पूण हांव म्हजें ध्येय, म्हजें व्रत सोडचीं ना.' कण्णगीची उतरां आयकून देवंदी अजापली. संकटकाळार लेगीत देवाच्या शरण वचनासतना आपलें व्रत सांबाळपी कण्णगीची तिका अपुरबाय दिसली. हाका म्हण्टात पातिव्रत्य!

तीं दोगांय उलयता आसतनाच कोवलन थंय पावलो. कण्णगी अजाणान ताका पळेत उल्ली. तिचे खोश्येक शीर मेर नासली. तिचें मन तो मेळिल्ल्याचे खोश्येन नाचूंक लागलें. एकाद्या काळ्या घरांत अकस्मात उजवाड पडचो आनी सगळें घर उजवाडान भरून वच्चें तशें जालें. ती धांवत कोवलनासरीं गेली आनी ताका पांयां पडली. एकाद्या बावक्या फुलावरी कण्णगी सुकून गेल्ली. कोवलनान म्हळें 'कण्णगी हांवे तुका खूब त्रास दिले. तुजेसारखी रुपेस्त, गुणेस्त बायल मोडून हांव फुकटचो अेका फटींग बायलेच्या मोगांत घुस्पलों. हांव सगळेतरेन काबार जालां. आतां म्हाका केल्ल्या कर्माचो पश्चात्ताप जाता. ही कूड तुका मेळचेपयलींच ना कित्याक जाली ना काय? कण्णगी, खंयच्या तोंडान तुका पळोवं? कितें करचें तेंच कळना. म्हजो पयसो, प्रतिश्टा, चरीत्र सगळे ना जालां. उल्ल्या ती फकत ही कूड. कण्णगी म्हाका माफ कर.'

आपल्या घोवाक समजायत कण्णगीन म्हळें, 'तुमी पयशांची चिंता करूं नाकात. तुमच्या सुखाखातीर हांव सगळें सोडूंक तयार आसां. घोव होच म्हजो देव. म्हज्या

बापायन म्हाका दिल्लीं हीं पायजणां तुमी घेयात.

कण्णगीच्या मनाचें व्हडपण पळोवन कोवलनाक दिसले, केदें व्हड मन हिचें. म्हज्या येदचा व्हडल्या गुन्यावाखातीर एका उतरानूय विचारना. उरफाटें आपलीं मोलादीक पांयजणां दिता. ताणे म्हळें, ' कण्णगी तूं व्हड मनाची. ह्या पांयजणांतलें एक पांयजण लेगीत आमकां भरपूर धन मेळोवन दितलें. आनी त्या पयशाचेर आमी आनीक पयशे जोडचे. आतां ह्या गांवात रावचेली म्हजी इच्छा ना. आनी खंयतरी पयस वचूं या.'

x x x

घोवाचे इच्छेप्रमाण कण्णगी भायर सल्ली. वाटेंत ताणीं कवुंदी अडी नांवाच्या एका जैन साधुचें दर्शन घेतलें. ताका पायां पडलीं. कण्णगीं–कोवलनची वळख जातकूच साधून तांका म्हळें, ' हे वाटेन कोण मनीस आसना आनी रस्त्यांत जंगली जनावरांबी आसतात देखून तुमी हेवटेन एकटचान वचप सारकें न्हय. हांवूय तुमचेवांगडा येतां.'

आनी ते तिगूय प्रवासाक लागले. दनपारच्या कडक वोतांत चलप जायना जालें म्हणून ते दिसाचो विसव घेताले आनी रातचे मुखार वताले. वतां वतां साधू मदीं मदीं पांड्यराज्याच्या वैभवाचें आनी धर्मनिश्टेचे गूण गायतालो तर मदींच जैन धर्माच्या म्हान तत्वांचे वर्णन करतालो. ताच्या ह्या बडबडाक लागून तांका प्रवासाचो शीण जायनासलो.

मदुरा नगराच्या मदलशेक मिनाक्षी देवीचें देवूळ आसा थंय दरकसा व्हडा दबाज्यान नवरत्रां जातालीं. ह्या देवळाक मदलशेक दवरून मदुरा नगराचो विस्तार केल्लो. नगरांतल्या खंयच्याय वाठारांतल्यान देवळाचो घूड नदरेक येतालो. धर्ममोगी राजा आनी राजनिश्ट प्रजा हाचे-भितल्या मोगाक लागून मिनाक्षी देवीच्या उत्सवाक खोश्रेची भरती येताली.

म्हण्टकूच अश्या ह्या नगरांत घर करूक रावल्यार आपणाल्या गुणांचे चीज जातलें अशें कण्णगी –कोवलनाक दिसप सभावीक. नगरालागीं फांतोडेर पावता म्हळचार तांच्या कानार मिनाक्षी देवळांतल्या चौघुड्याचो आवाज पडलो. ते तिगूय वैगै न्हंयचे देगेर आयले. व्होड्यांत बसून पलतडीं गेले आनी देवळाच्या मुखेल दारालागीं आयले. पूण कण्णगीक कांय दिसांफाटीं पडिल्लें सपन याद जावन ती सामकी अवस्थ जाल्ली. तिचें मन चिंता आनी भंयान भल्लें. आपल्या नशिबांत मुखार कितें वाडून दवल्लां काय हीच चिंता तिका सतायताली. पूण आपल्या घोवाक दुख्ख जावचें न्हय म्हणून तिणे आपली अवस्था लिपयली.

मिनाक्षी देवीचें दर्शन घेतलेउपरांत तिगांय एके धर्मशाळेंत आयलीं. कण्णगी आनी त्या साधूक थंयच दवरून कोवलन न्हावन पूजा करूंक म्हूण तळयेर गेलो.

x x x

तेवटेन कोवलनाच्या यादीन माधवी भोव दुख्खी जाल्ली. दिसा फाटल्यान दीस वताले पूण माधवीच्या दोळ्यांतसून येवपी दुकांच्यो झरी उण्यो जाय नासल्यो. ती ताची याद काडीत आसली. जायते दीस जावन लेगीत कोवलन परतो आयलोना तें पळोवन तिणे एक पत्र बरयलें आनी कौशिक नांवाच्या एका विद्वान पंडिताकडेन तें दिवन कशेंतरी कोवलनामेरेन पावोवंक सांगलें. कौशिकान बरें म्हळें.

माधवीलें पत्र घेवन तो भायर सल्लो. वाटेंत ताका मदुरेच्या तळये म्हन्यांत अकस्मात कोवलन दिसलो. पूण ताका तो कोवलनूच म्हणपाची खात्री नासली. कोवलनाक माधवीची याद कशी करून दिवप हें तो चितूंक लागलो. तसो तो हुशार आसलो. ताणें तळयेंत आशिल्ल्या माधवी नांवांच्या वालींक पळोवन म्हळें, ' ए माधवी वालींनो, जे प्रमाण माधवी कोवलनाच्या यादीन सुकत गेल्या तेचवरी तुमीय सुकल्यात. तुमची स्थिती माधवी वरीच जाल्या. माधवीचें दुख्ख तुमकां कशें कळ्ळें ? ' कोवलनाच्या कानार हीं उतरां पडलीं आनी ताका अजाप जालें ताणे त्या पंडी-ताची वासपूस केली तेन्ना त्या पंडितान म्हळें, ' कोवलन, तुजे आवयबापूय तुजे यादीन सामके खंती जाल्यात तुज्या सोयऱ्या धायऱ्यांची जाल्यार न्हीद गेल्या. बाबडी माधवी लेगीत तुजे यादीन सामकी तळमळटा. तिणे तुजेखातीर एक पत्र दिलां. तें पत्र पळोवन कोवलन चितेस्त जालो. माधवीन बरयल्लें, ' मोगा म्हाका माफ कर. हांवें तुमची वाट लायली. म्हजेखातीर तुमी तुमच्या आवय–बापायक दुख्ख दिलें. म्हजेखातीर तुमचें सगळ गेलें. म्हाका हाचो पश्चाताप जाता. म्हाका माफ कर आनी जंय आसा थंय सुखासमाधानान रावात. म्हजी इतलीच इच्छा. तुमकां नमस्कार करतां आनी पत्र सोपयतां '

कोवलनान तें पत्र परत परत वाचलें. ताच्या दोळ्यांत दुकां आयलीं. माधवीच्या पदाचो चुकीचो अर्थ लावन ताणे तिचेर संशय घेतिल्लो ताचो ताका पश्चात्ताप जालो. तशें पळेल्यार माधवीचो कांयच दोश नासलो.

आपणे वोगीच तिचेवद्दल गैरसमज करून घेतलो हाची ताका खंत जाली. तो सामको निर्शेलो. तेच अवस्थेंत ताणे आपल्या आवय वापायक दिवंक म्हूण एक पत्र माधवी नांवान दिलें. आनी तो थयसून गेलो.

उपरांत कोवलन आनी कण्णगीक घेवन कवुंदी अडी, भद्रकाली देवळांत गेलो. थंय मादरी नांवाचे जाण्टेलेकडेन तांची वळख जाली. ते जाण्टेलेन कवुंदी अडीक नमस्कार केलो. साधून ते बायलेक म्हळें, 'हें एक पुण्यवान जोडपें, कावेरी नगरांतलें. हें गिरेस्त जोडपें दुर्दैवान गरीब जालां. तें परत पयले स्थितीचेर यो म्हणसर तांका सांबाळ.' आनी कवुंदी अडी थंयसून परतलो.

कण्णगी–कोवलनाक घेवन मादरी आपल्या घरा गेली. आपल्या घराशेजारच्या खोपींत तिणें तांच्या रावपाची वेवस्था केली. तांच्या संवसाराक जाय त्यो गजाली भेट म्हूण दिल्यो. गरीबीत पूण समाधानान कण्णगी–कोवलन थंय रावंक लागलीं. कण्णगी पयलींवरीच घोवाची सेवा करताली. कोवलनूय आपले बायलेची काळजी घेतालो आनी मुखावेल्या जिविताचीं सपना रंगयतालो.

x x x

दिसानदीस कोवलन–कण्णगीची खोस वाडटाली पूण तेववांगडा हातांतले दुडू सोपताले कोवलनाकडे एकूच पयसो नासलो संवसार चलोवचेखातीर तांचेकडचें पांयजण विकपाची ताचेर वेळ आयली निमाणें विकचे तयारेन एक पांयजण घेवन तो भायर सल्लो. ताणें चितलें एकाद्रचा शेटीक विकल्यार ताचें सारकें मोल मेळटलें. तितल्यान ताका एक शेट मेळ्ळो. तो राजालो शेट आसलो आनी राजम्हालांतले काम सोपोवन ता घरा वतालो. ताका आडावन कोवलनान विचालें, 'म्हजेकडेन एक मोलादीक पांयजण आसा. तूं ताचें सारके मोल सांगशी ?' आनी ताणें तें पांयजण शेटीकडे दिलें. तें पांयजण सारकें मदुरा नगराच्या राणयेच्या पांयजणावरीच आसलें. राणयेचें पायजण कांय दिसांपयली ना जालें आनी तें ह्या शेटीनूच चोरिल्लें. कोवलनान दिल्लें पांयजण पळोवन शेटीक राणयेचे पांयजणाची याद जाली. दोनी पांयजणां पळोवंक सारकींच दिसतालीं. आपणाली चोरी लिपोवचेखातीर ही बरी संद आसा अशें ताका दिसलें. ताच्या मनांत एक वायट विचार आयलो, 'जर हांवे हें पांयजण राजाक दाखयलें आनी राणयेचें पांयजण चोरवी चोर होच म्हूण सांगलें तर राजा ताचेर विश्वास दवरतलो आनी चोर म्हणून हाका धरतलो. हाका धरलो तर म्हजी चोरी पचतली.

ताणे रोखडेंच कोवलनाक म्हळें, 'इश्टा ह्या पांयजणाचें मोल खूब जातलें आनी फकत राजाच तें विकतें घेवंक शकतलो. तुमकां पुरो जालांशें दिसता तेन्ना तुमी ह्या देवळांत विसव घेयात हांव हें पांयजण राजाक दाखयतां आनी ताचें पुराय मोल तुमकां दिवंक सांगतां.'

बाबडो कोवलन, ताचेर प्रसंगूच असो आयिल्लो की ताका थांबूकच जाय आसलें. भरपूर पयशे मेळटले हे आशेन तो थंयच बसलो. बाबड्या कोवलनाचें दैव त्या पांयजणाभोंवती भोंवतालें.

x x x

शेट राजम्हालांत पावलो तेन्ना थंय खोशेची कारंजी उसळटालीं. राजम्हालांत एका सुंदर बायलेचो नाच चलतालो. राजा त्या नाचांत स्वताक विसरिल्लो. आपल्या शेजरा राणी बसल्या म्हणपाचें तो विसल्लो. राजाचें चित्त जाग्यार ना म्हणपाचें राणी वळखली आनी तकली उसळटा म्हूण निमित्त करून थंयसून सडसडीत उठून गेली. वाजप थांबलें. नाचूय थांबलो आनी राजा भानार आयलो राणयक राग आयला म्हणपाचें कळून तो तिचो समज काडूंक भितर वचूंक लागलो. हेच संदेचो लाव घेवन शेटीन राजाक गांठलो आनी म्हळें 'राणयेचें पांयजण चोरपी चोराक हांवे धल्ला ताका फावशी ख्यास्त करची.' राजा आपल्याच तंद्रेत आसलो ताणे मातूय विचार करी नासतना कितें खरें कितें फट तें पळेनासतनाच सांगले, 'बरें आसा. जाचेकडेन पांयजण मेळ्ळां ताका जितोच मारात आनी पांयजण राजम्हालांत हाडून दियात.'

राजाज्ञा मेळटांच शेट शिपायांक घेवन कोवलनासरीं आयलो. कोवलन शेटीची वाट पळेत बशिल्लो. शेटीक पळोवन ताका खोस जाली कोवलन कितेंय उलोवचेपयलींच शेटीन शिपायांक सांगलें, 'होच तो चोर जाणे राणयेचे पांयजण चोरिल्लें, मारून उडयात हाका.' शिपायांनी कोवलनाच्या बाबड्याश्या तोंडाक पळोवन म्हळें, 'हो चोर आसत सो आमकां दिसना. हाच्या तोंडार मातूय भय दिसना हाणें गुन्यांव केलोना तर ताका मारप सारकें न्हय.'

हाचेर त्या शेटीन म्हळें, 'शिपायांनो तुमी राजाज्ञेची याद करून हाका मारून उडयात. ना तर आमी राजाज्ञा मोडलीशी जातली आनी मागीर राजा तुमकां आनी म्हाकाय मारून उडयतलो.'

उपाय ना जावन एका शिपायान आपली तरसाद उबाल्ली आनी कोवलनाचें शीर धडापासून वेगळें केलें. रगताचो पाट व्हांवलो. एका फटींगाक लागून आनी विचार नाशिल्ल्या राजाक लागून कांयच गुन्यांव नासतना कोवलन मेलो. पूण राजाक हें कोण सांगतलो आसलो ?

x x x

हेवटेन कण्णगी घोवाची वाट पळेत बशिल्ली. मादरीकूय कांय अपशकून जाले. सांजवेळ जाली तरी कोवलनाची कांयच खबर कळ्ळी ना. कण्णगी सामकी पिशी जाल्लेवरी जाली. मादरी कशीतरी तिका समजायताली. तिणे ती रात सामकी दुखेस्त अवस्थेंत कशीतरी काडली.

दुसरे दिसा सकाळीं सदचेवरीच मादरी न्हावंक वैगै न्हयचेर गेल्ली. कोवलनाक माल्लो म्हणपाची खबर गांवभर जाल्ली. मादरीकूय ही खबर कळ्ळी. तिणे कण्णगीक ही वायट खबर जड जावन सांगली. कण्णगी घुंवळ येवन पडली. राजान न्याय न्हय तर अन्याय केला म्हणपाचें लोकांक ल्हवू-ल्हवू कळूंक लागलें.

कांय वेळान कण्णगी शुद्धीर आयली तेन्ना रागान तांबडी जाल्ली. ती आडुली, ' म्हज्या घोवाचेर घाल्लो चोरयेचो आळ हो ताचेर केल्लो अन्याय. म्हजो घोव व्हड घरचो, बऱ्या चारित्राचो आनी सुशिक्षीत. तो कुळाक कलंक लावपी काम केन्नाच करचो ना. वेळ आयल्यार जीव दीत पूण नांव पेडचार करचो ना. म्हज्या घोवाचो कांयच गुन्यांव नासतना राजान आपल्याच नादांत ताका मारचेलो हुकूम दिला. ' रागान ती कालीमातेवरी जाल्ली. तिणे केंस मेकळे सोडिल्ले. एकाद्रचा तिरावरी धांवत ती राजम्हालाम्हऱ्यांत आयली. तिचें तें रूप पळोवन तिचेकडेन उलोवपाची कोणाकूच छाती जायना जाली. कण्णगी व्हडाव्हडान विचारूंक लागली, ' म्हज्या घोवाक अविचारान माल्ला. ताचो कांयच गुन्याव ना. तुमच्या राज्यांत फकत अन्यायूच भल्ला व्हय ? '

आतां लोकानीय उलोवंक सुरवात केल्ली, ' राजान अविचारान कांयच चवकशी करी नासतनाच शिपायांक कशी आज्ञा केली ? आमच्या राज्यांत न्याय उरूंक ना काय ? हे घटणेक लागून राज्याची किर्त गायेक मेळ्ळी.'

राजम्हालालागींच कोवलनाची कूर पडिल्ली. कण्णगीन ती पळेली आनी तिच्यान रावंक जाल ना. तिण त्या मडचार घालून घेतलें आनी व्हडान रडत म्हणूंक लागली, ' ए देवा, हे नाजूक कुडीक केदी व्हड ख्यास्त दिली. कांयच गुन्यांव नाशिल्ल्या कोवलनाक मारून राजाचे प्रतिष्टेंत कसली भर पडली काय ?'

तिणे आपल्या घोवाची तकली कुडीम्हऱ्यांत दवल्ली. ताका आपले मांडयेर घेवन म्हणंक लागली, ' मोगा हांव दुख्खान तडफडटां. म्हजें दुख्ख तुमकांच कळटलें. तुमी म्हाका समजावंक शकचे नात ?'

आनी तिका भास जालो, कोवलन जितो जावन तिका सांगता, ' मोगाळ कण्णगी, आतां तंच दाखोवन दी हांव गुन्यांवकारी न्हय म्हूण. म्हजेर घाल्लो आळ तुज्यानूच ना करूंक जातलो. चल आमचेर घाल्ले आळ फट म्हूण राजाक पटोवन दी. म्हजो आशिर्वाद तुजेफाटल्यान आसा.'

कण्णगी सडसडीत उठली, घोवाच्या रगताचो तिळो तिणे कपलाक लायलो आनी हातांत एक पांयजण घेवन ती तेच चंडिकेच्या अवतारांत पांडचराजा नडुंचेलियनाच्या म्हालांत गेली.

x x x

ज्या दिसा कोवलनाक माल्लो ते रातीं पांडचराजाचे राणयेक एक वायट सपन पडलें. सकाळीं उठ्ठकूच तिणें तें राजाक सागलें. हांवे काल एक भयंकर सपन पळेलें. चारूय दिको थरथरताल्यो. न्यायासनाची घांट परत परत वाजताली. कुपांनी मळबांत जमून सगळ्याक काळोख केल्लो. सुर्या नाच जाल्लो. दिसाचींच मळबांत नखेत्रां दिसतालीं. सगळेकडेन मोड जाल्लें. राजदंड, राजध्वज आनी राजछत्र जमनीर कोसळून पडिल्लें. हें सगळें पळोवन हांव निर्शेलीं. म्हजें मन भंयान थरथरना ' राजाक हें आयकून अजाप दिसलें. तोय मनांतल्यान भियेलो. पूण तशें दाखयनासतना ताणे राणयेक समजायली आनी सदचेवरीच तो राजकारभार पळोवंक गेलो.

हेवटेन घोवाचें मडें थंयच सोडून कण्णगी राजम्हालाच्या दारांत आयली शिपायांनी तिका थंय आडायली. आतां तर तिचो राग आनीक वाडिल्लो. तिणे शिपायांक आड्डून सांगलें, ' निर्बुद्ध राजाच्या मूर्ख शिपायांनो, म्हाका भितर वचूंक दियात म्हाका राजाक मेळूंक जाय. म्हाका राजाक जाप विचारचेली आसा. म्हाका न्याय जाय. कण्णगीचो आवाज आयकून शिपाय भियेले. तांतल्या एकाक दिसलें, ही बायल ह्या नगरांतली न्हय. कितलें भयंकर हिचें रूप, जशी कितें दुर्गाच. कितेंय जावं, हिका

भितर वचूंक दिवंकूच जाय. ताणे कण्णगीक म्हळें, ' देवी, मात्शी राव, हांव राजाक तूं आयिल्ल्याची खबर सांगता.'

त्या शिपायान राजाक कण्णगी आयिल्ल्याची खबर सांगली. तिचें वर्णन करून म्हळें, ' ते बायलेक न्याय जाय देखून ती तुमकां मेळूंक सोदता. ' हें आयकून थंयच उबी आशिल्ले राणयेक भंय दिसलो. राजान शिपायाक कण्णगीक घेवन येवंक सांगलें. राजाची आज्ञा मेळळी आनी दुर्गेवरी अवतारांत कण्णगी राजम्हालांत आयली. तिचे दोळे तांबडें जाल्ले, केंस मेकळे सोडिल्ले, कपलाक रगताचो तिळो आसलो, तिचें तें रूप पळोवन राजा--राणी दोगांय भियलीं. कण्णगी मोडावरी राजम्हालांत आयिल्ली. पूण त्या राजदांपत्यांक पळोवन थंयच रावली.

राजान विचाल्लें ' देवी तुमी कोण ? खंयसून आयल्यात ? म्हजेकडेन कसलें काम आसा ? आनी तुमी रागार कित्याक ?' ह्या प्रस्नान कण्णगीची अवस्था एकाद्रचा दुखयल्या सर्पावरी जाली. तिणे म्हळें,' अज्ञानी राजा हांव कोण तें आयकुचेलें आसा ? हांव त्या देशांतली ज्या देशाच्या सम्राटान शिबीराजान एका सुकण्याक वाटावचेखातीर आपले मांडयेचें मांस कापून दिल्लें हांव कावेरीपट्टमच्या शैव परंपरेतल्या त्या म्हान मनशाची बायल जाका चोरयेचो आळ घालून तुमच्या शिपायांनी जितोच माल्ला त्या मनशाचें नांव कोवलन. ताणे कांयच गुन्यांव करूंक नासतना तुंवे अन्यायान, अविचारान ताका ख्यास्त दिल्या.'

राजान म्हळें, ' चोराक मारप हें राजाचें काम. तो अन्याय न्हय हें आमच्या राज्याच्या न्यायपरंपरेप्रमाण आसा.

' तुका न्याय आनी अन्याय हांतलो फरक कळना. तूं एक अधर्मी राजा जावन आसा.' कण्णगीन म्हळें.

' तुज्या घोवान राणयेचें पांयजण चोरिल्लें. ताणें तें आपल्या हातानूच शेटीक दिलें. हाचेवेल्यान तो चोर म्हणपाचें सिद्ध जालें. मागीर ताका ख्यास्त दिली तर खय चुकलें?' राजान म्हळें.

' राजा, तें पांयजण तुजे राणयेचें न्हय. तें म्हजें.' कण्णगीन सांगलें.

' राणयेच्या पांयजणांत मोती बसयल्यात.' राजा.

' म्हज्या पांयजणांत माणकां आसात.' कण्णगीन म्हळें आनी राजा भियेलो. म्हणूंक लागलो, 'तशें जाल्यार पांयजण तपासून पळोवचें पडलें.'

कण्णगीचें पांयजण शेटीकडे आसले तें राजान मागून हाडलें आनी तें कण्णगीक दिलें. आतां कण्णगीच्यान राग सोसूंक जालो ना. तिणें सट्ट करून तें पांयजण शिवासनाच्या सोपणार आपटीलें. पांयजणांत बसयल्लीं माणकां सगळ्याक उसळ्लीं. तांतलें एक माणिक राजाच्या तोंडार आपटलें.

राजाक आपली चूक कळ्ली. ताका व्हड धक्को बसलो. ताका दिसलें आपल्यो आंतकडचो भायर सरतात. ताणें म्हळें, ' शी, एका शेटीच्या उतरार पातयेवन हांव धर्मा विरूद्ध वागलों. म्हज्या हातान अन्याय घडलो. हांव ह्या शिवासनार बसूंक लायक न्हय. म्हजें जिवीत हांगाच सोपूं.'

राजाच्यान हें दुख्ख सोसंक जालें ना. ताचें जिवीत थंयच सोपलें. ही घटणा पळोवन राणीय दुख्खी जाली. ती राजाच्या पांयार पडली आनी थंयच मेली. कण्णगी आनी राणी दोगांचीच सपनां खरी जाल्लीं.

x x x

राजाराणयेच्या मरणाउपरांतूय कण्णगीचो राग न्हिवूं नासलो. राजम्हालाच्या भायर येवन तिणें शाप दिलो, ' सज्जन दादले, बायलो, भुरगीं आनी सन्यासी सोडून हेर पुराय मदुरा नगराचो गोबोर जावं.' आनी खिणांत तें नगर पेटून गोबोर जावंक लागलें.

कण्णगीचो राग अग्नीदेवारुपान मुखार रावलो तेन्ना कण्णगीन ताका मदुरा जाळून गोबोर करूंक सांगले अशें म्हण्टात आनी तेप्रमाण अग्नीदेवान मदुरेचो गोबोर केलो. वैभवान भरिल्ली मदुरा उज्याच्या जाळांनी जळून गेली. चुकूनलेगोत मनांत वायट विचार हाडी नासतना शुद्ध आनी पवित्र जिवीत जगपी कण्णगीचो शाप खिणांत खरो जालो. अशें कित्याक जालें ? त्याच खिणाक थंयची गांवदेवी मदुरा कण्णगीमुखार प्रगट जाली आनी म्हणूंक लागली, ' कण्णगी तूं म्हासती जावन आसा, तुजें दुख्ख हांव जाणटां. म्हजें आयक. पांड्यराजा वायट न्हय पूण तुज्या पूर्वजल्माच्या कर्माकलागून राजान तुजेर अन्याय केला. ताका लागून तुका इतलो त्रास जाला.' अशें म्हणून देवीन कण्णगीक तिच्या पयलीं जल्माची काणी सांगली.

सिंगापूर देशांत वसू नांवाचो एक राजा राज्य करतालो. एकदां संगम नांवाचो एक वेपारी आपल्या कामाखातीर म्हूण थंय आयलो. भरत नावाच्या राजाच्या शिपायाक तो कोणतरी दुस्मान राज्यांतलो हेर आसुये शें

दिसलें आनी ताणे संगमाक धरून राजामुखार व्हेलो. राजानूय चड वासपूस करीनासतना ताका जितो मारपाची ख्यास्त दिली. हाका लागून संगमाची घरकान्न निली भोव दुख्खी जाली. निली तो गांव सोडून गेली आनी लागींच्याच एका दोंगरार चवदा दीसमेरेन दुख्खी मनान रावली. उपरांत तिण शाप दिलो, ' म्हज्या ह्या दुख्खाक जबाबदार आशिल्ल्यांक अशेंच दुख्ख भोगूं ' आनी तिणे जीव दिलो. तोच भरत आतां कोवलन जावन तुज्या घोवा उपान जल्मल्लो आनी म्हासती निलीच्या शापाक लागून तुका हें सोसचें पडलें. तूं चवदा दिसांनी तुज्या घोवासरीं पावतली. इतलें सांगून आनी कण्णगीक समजावन मदुरा देवी ना जाली. आतां कण्णगीक सगळें समजल्लें.

जळपी मदुरा नगराक कण्णगीन न्हिवयलें तिणें तें नगर सोडलें. रातदीस चलत चेर राज्याची राजधानी वंजीनगराक ती आयली. थंय एका उंच दोंगरार एका झाडाखाला ती घोवाची वाट पळेत रावली. चवदाव्या दिसा सर्गांतल्यो देवता कोवलनाक घेवन विमानांतल्यान धर्तरेर आयल्यो. तातूंत बसून कण्णगी घोवावांगडा सर्गांत गेली.

❋ कोंकणी भाशेक उजळ फुडार आवडेतात ❋

भोलानाथ सॉ मिल्स

निरंकाल रोड,

फोंडे–गोंय

फोन : २१९ (घर)
१५९ (ऑफीस)

कण्णगी–कोवलनाच्या मरणाची खबर आयकून त्या दोगांयच्या आवय–बापायंक खूब दुख्ख जालें. कोवलन कण्णगीच्या आवयांनी उज्यांत उडी मारून जीव दिलो. तांच्या बापायांनी आपणाकडलें धन दान करून सोपयलें आनी संन्यास घेतलो. माधवीनय आपलें धन दान करून, ती संन्याशीण जाली. तिणें आपली धूव मणिमेखला हिका आपलो गुरू आवरण अडिजी हाचेकडन शिकूंक दवल्ली.

हेवटेन मादरीक सगळी खबर कळटकूच ती भोवच दुख्खी जाली. तिणें चितलें, ' म्हजो गुरु कवुंदी अडिजी हाका दिल्ल्या उतराप्रमाण हांव पुण्यवान जोडप्याक सांबाळूंक शकली ना. ' आनी रडत–रडत तिणे उज्यांत उडी माल्ली. कवुंदी अडिजीकूय ह्या गजालींक लागून दुख्ख भोगलें. असले पुण्यवान लोक अशेतरेन सोंपप ताका सारकें दिसलें ना. ताणे जैन धर्मांतलें सल्लेखन नावाचें व्रत आपणावन हो संवसार सोडलो.

ही सगळी खबर चेर राजा शेंगुत्तुवानाक कळ्ळी. मदुरेचो राजकवी शात्तन्नार कांय दिसांपयलीं आयिल्लो. ताका कण्णगीचें चरित्र खबर आसलें. ताणें तें सगळ्यांक सांगलें. तें आयकतकूच राणी चेरमादेवीचें मन हाल्लें आनी तिका कण्णगीच्या पातिव्रत्याचो आदर दिसलो. तिका दिसलें अश्या ह्या व्हड बायलेचें बरें स्मारक जावचें. तिणें राजाक सांगलें आनी राजान रोखडेंच मानलें. हिमालयांतल्यान संगमरवरी फातर हाडून ताची मुर्त तयार करून ती वंजीनगरांत थापली. त्या स्मारकाच्या उकतावनाखातीर हिमालय ते कन्याकुमारीमेरेनचें राजा हाजीर आसले. लंकेचो राजा गजबाहूय आयिल्लो. आजूय वंजोनगराचे लोक कण्णगीचो भगवती म्हणून उल्लेख करतात.

x x x

कवी इळंगो अडिगल हाणें ' शिलप्प दिगारम ' ह्या सोबीत काव्यांत कण्णगीची काणी गुंथल्या. शिलंबु म्हळ्यार पांयजण आनी अदिगार म्हळ्यार व्हडपण. पांयजणाच्या व्हडपणाचें वर्णन करपी काव्य म्हळ्यार शिलप्प दिगारम. हें काव्य मूळ तामीळ भाशेंत बरयलां. हें काव्य बरें रसाळ, प्रतिभासंपन्न आसून तातूंत गेयता आशिल्ल्यान तें तामीळ लोकांमदीं प्रिय जालां. ह्या काव्याची भास सादी, सोपी आनी समजुपासारकीच आसा.

◆ ◆ ◆

क्षयरोगाला सामना द्या

१. दोन आठवड्यापेक्षा अधिक काळापासून तुम्हाला सतत खोकला येत असेल किंवा थुंकीमधे तुम्हाला रक्त आढळून आले तर तुम्हाला फुप्फुसाचा क्षयरोग झालेला असू शकतो.

२. तुम्ही जवळचे प्राथमिक आरोग्य केंद्र, औषधालय किंवा क्षयरोग केंद्रामधे स्वतःला तपासून घ्या विशेषत तुमची थुंकी तपासून घ्या.

३ डॉक्टरांनी सांगितलेले औषध नेमून दिलेल्या काळामधे नियमित घेतले तर क्षयरोग बरा होऊ शकतो.

४. रोग झाल्यानंतर तो बरा करण्यापेक्षा आधीच त्याला आळा घातलेला अधिक चांगले म्हणूनच तुमच्या बाळाला बी.सी.जी. लस टोचून घ्या.

सेंट्रल हेल्थ एज्युकेशन ब्यूरो (डी.जी.एच.एस.)
आरोग्य आणि कुटुंब कल्याण मंत्रालय
कोटला रोड, न्यू दिल्ली - 110002

davp 88/729 MAR